



आगस्ट १९८६













कुळागर

स्ट १९८६

: आठवें

: ८

अंकाचे मोल : २ रुपया

ी पटी : २५ रुपया

क :

त थळी

यण वाडोळकार

त विभाग प्रमुख :

ठ पैं

ावळ :

जे. हुंद्रे

द्रणालय, कडोलकर गल्ली,

ंव. फोन : २३०७९

आनी उजवाडावपी :

ंत केणी

र प्रकाशन,

. नं. ७८

-गोंय-४०३६०१



मांडावळ

संपादकीय

ज्ञानपीठ पुरस्कार आनी कोंकणी

भारतीय साहित्यिक क्षेत्रांत गडगंज आनी प्रतिश्ठेचो मानतात तो ज्ञानपीठ पुरस्कार हे खेपे गुजराती कथा–कादंबरी लेखक श्री. पन्नालाल पटेल हांकां मेळ्ळा. ' मानवीनी भवाई ' हे तांगेले कादंबरीखातीर तो तांकां दिला. ह्या आदीं गुजरातीचे कवी श्री. उमाशंकर जोशी हांकां हो पुरस्कार मेळिल्लो. भौ–भाशिक भारतांत दोन फावटी पुरस्कार मेळिल्ल्यान गुजराती भाशेच्या साहित्यिक गौरवांत भर पडटली हातूंत इल्लोय दुबाव ना.

तातूंतय श्री. पन्नालाल पटेल हांकां हो पुरस्कार मेळिल्ल्यान गुजराती लेखकांक आनी वाचकांक चड संतोश जावंक फाव. खासा आवयभाशेचें मुळावें शिक्षण जेमतेम घेतिल्ले, पुण आपले काळजाक पीळ घालपी प्रतिभन गुजराती वाचकांची मनां जिखिल्ले श्री. पन्नालाल पटेल हे ' अशिक्षित ' लेखक आवयभास सोडून संवसारातली दुसरी खंयचीय भास तांकां येना. घडये तांगेली भास आनी शैली अकृत्रिम शुद्ध उरपाक तांगेलें हें ' अडाणीपण ' तांकां उपकारलें आसत. ज्या युगांत चडशे भारतीय लेखक पाश्चात्य साहित्याचें अनुकरण करून कथा–कादंबऱ्यो बरयतले त्या युगांत गुजराती भाशेक थळावे मातयेचो वास आशिल्ली, दवाचे थेंब अजून पुरते झडूंक नाशिल्ल्या फांतोडेवयल्या फुलावरी ताजी टवटवीत कथा पन्नालाल पटेलांनी गुजरातीक दिली आनी रसिक वाचक तांचे कथेचेर भाळ्ळो तांगेले कथेन गुजराती कथेक अेक नवें रूप दिलें. तांचे विशय, रचना आनी शैली आगळी वे[…] राज्याच्या अेका वाठारांतल्या खेडवळ भाशेक [...] साहित्यांत प्रतिश्ठा मेळोवन दिली. खेडवळ खरी [...] अर्थघन अशी तांची भास.

अशा लेखकाक भारतांतलो व्हडांत व्हड म्हण[...] तो ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळिल्ल्यान आनीक अेक [...] घडूंक पावली. कवी रवीन्द्रनाथ टागोर हांकां [...] पुरस्कार मेळसर बंगाली साहित्यक्षेत्रांत तांकां [...] वा स्थान नासलें पन्नालाल पटेल हांच्या वांटयाक [...] उपेक्षा आयली ना, इतलेंच न्हय तर भायल्यांचे तो[...] बगर तांकां हो पुरस्कार मेळूंक पावलो.

ज्ञानपीठ पुरस्कार हो श्रेष्ठ भारतीय साहित्यि[...] दितात आसले तरी तो दिता आसतना घटनेचे अ[...] वळेरेंत ज्या भासांचो आसपाव जाता त्याच भासां[...] साहित्याचो विचार जाता. देखून एकाद्रया समर्थ कों[...] लेखकाक तो पुरस्कार मेळचो अशी इत्सा उक्ता[...] आदीं अेक तर त्या पुरस्काराच नेम बदलचे नाजा[...] घटनेचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आसपाव बेगोबेग जा[...] अशी मागणी करची पडटा.

खंयचेय सर्तींत वांटो घेवपाची लेगीत संद जर [...] मनशांक दुबळे थारावन दिली ना जाल्यार तो [...] मनशांचेरच न्हय तर सर्तीचेरय अन्याय जाता. तस[...] अन्याय साहित्यिक क्षेत्रांत आज कोंकणीचेर जाता [...] म्हळें जाल्यार लटकें जावचें ना.

मायणाचो संदेश

— लक्षिमबाय सरदेसाय

रामायण जाणे वाचूंक वा आयकूंक ना असो अेक तरी ह्या देशांत आसत काय ? म्हाका दिसना. म्हज्या भुरगेपणांत अेक जाण्टो गावडो येतालो बरप–अक्षर शिकूंक नाशिल्लो. वरांची वरां रामायणाची कथा सांगतालो– गावन दाखयतालो ांत.

आयज म्हाका चुरचुरे पड्टात त्या वेळार, हांवें ते बरोवन जाय आशिल्लें. कोकणी भाशेंतलें आदिकाव्य दाखोवंक येतलें लें आजूय खंय ना खंय असले लोक मेळटले, सोदून काडूंक

रामायणाची कथा पयली वाल्मीकीन बरयली. अुत्तर हिन्दु- त संत तुलसीदासान बरयली दक्षिणेक कम्बनान बरयली.

हांव आयकतां– जावा, सुमात्रा, बोर्नियो, वियेतनाम, दक्षिण– देशांतल्या कितल्याश्याच देशांनी रामायण पातळ्ळां. अितलें य काव्य संवसारांत दुसरें आसत, अशें म्हाका दिसना.

तें लोकप्रिय कित्याक जावंक पावले ? कांय जाण रामायणा- रूपक म्हूण पळेतात...

तांचे म्हणणे : लंकॉ म्हळयार षड्रिपु. सीता म्हळयार आमचो . राम म्हळयार परमात्मो. हनुमान गुरू आनी हनुमान जी ाडून सितेक दिता ती मुदी म्हळयार गुरूमंत्र...

भक्तिशास्त्रांत म्हळां–

आमचो आत्मो कुडींत बंदिस्त अुल्ला ताका कुडींत बंदिस्त क कामक्रोध लोभ बी षड्रिपु ताका वेश्टून रावल्यात. ाक परमात्म्याची ओड लागूंक जाय. परमात्म्यालागीं आपलें जावचें म्हुण तळमळ लागूंक जाय. मागीर मीलनाचो फुडलो परमात्मो करता. तोच षड्रिपूक मारता... आनी आत्म्याचें ालागी मीलन घडोवन हाडटा... संवसारांतल्या सगळयाच ी हो अणभव.

तांच्या मत्तान : आत्मो passive

परमात्मो active...

आत्म्याक फकत परमात्म्याचो ध्यास घेवन बसूंक जाय ..

रामायण जाणे बरयलें त्या वाल्मीकीक भक्तिशास्त्राचें हें काणयेच्या रूपान सांगपाचे आशिल्लें काय कितें, सांगू येना.

ताणे तें निखटें काव्यूच म्हूण बरयल्लें आसू येता. रूपकाचें आरोपण संतांनी मागीर केल्लें आसू येता. अेक खरें. रूपक म्हूण रामायणा- कडेन पळेलें जाल्यारूय ताचें काव्य अिल्लेंय अुणे जायना.

रामायणांत कांय जाण अितिहास सोदतात तांतल्या कांय जाणांचें म्हणणे, आयची लंका ही रामायणांतली लंका न्हय. रामा– यणांतली लंका मध्य भारतात खंय तरी आशिल्ली.

कोण ती अुडिसांत आशिल्ली म्हणटात. खरें फट, खबर ना–

पुणून अेक अितिहास वाचिल्लो. तो मात म्हाका लक्ष दिवपा सारको लागिल्लो.ह्या अितिहासकारांचें नांव हांव विसल्लें ताचें म्हण्णे आर्यांनी दक्षिण भारत वसयलें ताचो हो अितिहास– उत्तर भारतांत शेतकाम सगळयांत पयलीं सुरू जालें तें पाटलीपुत्राक. आयच्या बिहारांत रामायणांतलो ‘ जनक ’ हो थंयचो राजा. सीता तागेर वाडिल्ली पुणून जल्माक तागेर येवंक नाशिल्ली. ती जमनींतल्यान आयिल्ली– भूमिकन्या सीता ह्या अुतराचो अर्थ Furrow शेत नांगरता आसतना शेतांत जी चीर वा खळी पडटा तिका सीता म्हणटात.

म्हळयार राम सीतेक घेवन दक्षिणेक गेलो– हाचो अर्थ : आर्य शेतकाम घेवन दक्षिणेक गेले. ते मेरेन दक्षिणेचे भुंयेक नांगर लागूंक नाशिल्लो. ती ‘आहिल्या’ आशिल्ली.

आनी अेक कडेन अेक मजेदार भाष्य वाचलें–

रावण हो राक्षस, आमचे पुराणकार mongoloid जातीच्या लोकांक राक्षस म्हणटात. रावण mongoloid आशिल्लो हाका आधार रामायणांत आसा. तो लंकेचो राजा जावचे पयलीं तो त्रिविष्टपाचो राजा आशिल्लो अशें म्हळां.

त्रिविष्टप म्हळयार आयचो तिबेट. तिबेटी लोक mongo– loid जातीचो हो mongoloid दक्षिणेक कसो पावलो ? तर खंय तो कुबेराकडेन झुजलो. रावण आनी कुबेर भाव भाव. रावण व्हडलो, कुबेर धाकटो. कुबेरान व्हडल्या भावाकडेन राज्य आपणाक जाय म्हुण झूज मांडलें.

झुजांत रावण जिखलो. कुबेराक हार खावची पडली.

मागीर रावणान कितें करचें तर खंय ताणे भावाक आपयलो आनी सांगलें– ‘ घे तुका हें राज्य म्हाका नाका. हांव पयस वचून नवें राज्य वसयतां...’

आनी तो अुठून थेट लंकेक गेलो. हे कथेंत आमच्या अितिहासा आदल्या काळांतले खंयचे खंयचे पोड घुसपल्यात जातले. सांगू येना.

त्रिविष्टपाचो – तिबेटांतलो रावण दक्षिणेक लंकेक वचून राज्य करपाक लागलो. हाचो अर्थ आर्यानी दक्षिण वसयली तावें आदीं ती mongoloid लोकांनी वसयल्ली आसूं येता– mongoloid लोकानींच दक्षिणेक शिवलिंग– पूजा व्हेल्ली आसू येता– रामायणांत आमीं वाचलां– रावणाची आवय रावणा वांगडा लंकेक येता, पुणून ती येतना शिवलिंग हाडूंक विसरता–

तें हाडपाक रावण हिमालयांत वता– आनी आर्य ताका वाटेरूच फटयतात... लींग गोकर्णाक दवरतात... लींग–पूजा पयलीं तिबेटांत चलताली, तीच mongoloid लोकानी दक्षिणेक व्हेली असो हाचो अर्थ आसूं येता. परत, रावणाक रामायणान राक्षसूय म्हळां– आनी ब्राह्मणूय म्हळा...

ताका संस्कृत येताली तावें अेक सुंदर स्तोत्र संस्कृत भाशेंत आसा.... हाचो अर्थ कितें ? ब्राह्मण क्षत्रिय ही वर्ण व्यवस्था mongoloid लोकांत आशिल्ली ? आनी संस्कृतूय तांणीं घेतिल्ली ? कांय सांगू येना...

कशेंय आसूं रामायणा कडेन आमी रूपक म्हूण पळेलें कितें, वा अितिहास म्हूण पळेलो कितें, काव्य म्हूण तावें म्हत्व अुणे जायना.

अवतार मालेंत राम हो कृष्णा पयलीचो अवतार.

पुणून जायते जाणकार म्हणटात रामाची जी पूजा देशांत लोकप्रिय जाली ती कृष्णा अुपरांत...

तांचे म्हण्णे– कृष्णाक पूर्णावतार म्हूण आमी कल्पिलो. पूर्णावतार म्हळ्यार बऱ्यांतलो बरो योगी, बऱ्यांतल्यो बरो भोगी–

बऱ्यांतलो बरो खेळगडी, बऱ्यांतल्यो बरो झुजारी. धर्मान चलपी नवो धर्म घडोवपी... जें जे कितें बरें तें तें सगळें श्रीकृष्णांत आशिल्लें अशें आमी मानलें.

पुणून लोकांच्या लक्षांत मात अुल्ले तें तावें भोगी रूप...

परत, कृष्ण–पुजेचें रूपांतर मधुरा भक्तींत जालें.

राधे बगर कृष्णाची कल्पनाच करूं नज अशें जालें.

राधा आनी कृष्ण ही जोडी रूपक म्हूण मानिल्ली राधा आत्मो आनी कृष्ण परमात्मो ह्या रूपांत.

पुणून लोक हें रूपक विसल्ले... राधा दुसऱ्याची बायल आशिल्ली अितलेंच तांच्या लक्षांत अुल्लें... हाका लागून व्यभिचाराक प्रोत्साहन मेळ्ळें. ह्या व्यभिचाराक आनी अनाचाराक आळाबंदा हाडचो म्हूण आमच्या जाण्टेल्यांक अेक मर्यादा पुरुषोत्तम लोकां-मुखार दवरचो पडलो.

आनी तांकां राम मेळ्ळो.

लोकांमुखार आदर्श आसुंकूच जाय... ना जाल्यार समाज खंय व्हावन वता. रामायणान आमच्यामुखार सगळे तरेचे आदर्श दवल्ल्यात...

आदर्श राजा – राम
आदर्श पूत – राम
आदर्श भाव – लक्ष्मण आनी भरत
आदर्श बायल – सीता
आदर्श सेवक – हनुमान...
आदर्श दुस्मान – रावण...

हय, दुस्मान लेगीत आदर्शूच आसचो पडटा...

सगळ्या तरांच्या आदर्शांनी रामायण भल्लां ..

आदर्श राजवटीचें चित्र कशें आसचें तें सांगता आसतना लेगीत 'राम राज्य' म्हण्टाले.

रामायणान हे जे आदर्श राजाचे, आदर्श भावांचे, बायलेचे आदर्श आमच्यामुखार दवल्ले तांकां लागून आमच्या अेक देख मेळ्ळी...

अमके आमकां सोबना, तमकें बरें न्हय– अशें जें आमी वपाक लागली– तें रामायणाक लागून. रामायण आमच्या [illegible] भिनलां.

वाल्मीकीचे रामायण संस्कृत भाशेंतले, तुलसीदासाचें– भाशेंतलें, जंय तुलसीदासाचें हें रामायण वाचिनात असलें भारतांत अेक लेगीत घर आमकां मेळचें ना. अितलें हें चिरंतन जावन पडलां...

रामायणान आनीक अेक गजाल आमकां सांगल्या– तें म्हत्वाची. राम अीश्वराचो अेक अवतार पुणून ताच्या वां[…] लेगीत दुःखां आयल्यात.

अेक आनी दोन न्हय, कोणाच्याच वांटयांक येवचीं अितलीं... राज्याभिषेक फाल्यां जावपाचो आसा म्हळ्यार, कैकयीच्या कानांत कितें फुतफुतता.

आनी शिंवासनार बसूंक भायर सरिल्लो राम वनवासाक भायर सरता. वनवासांत सितेक रावण अुबारून व्हरता. सोडोवन हाडपाक रामाक झूज करचें पडटा.

झूज करून तिका तो सोडोवन हाडटा आतां सुखान करतलो म्हळ्यार– अेक मडवळ फुतफुतता...

आनी रामाक सीतेक सोडची पडटा... निमाणे अेक सीता परती येता– अग्नि परीक्षेंत पास जाता...

आतां तिच्या सांगातान रावतलो म्हळ्यार भूंय तोंड करता आनी सीतेक आपल्या गोपांत घेता..

दुःखां रामा सारकल्या अवताराक लेगीत चुकनात हो स[…]

गिमा अुपरांत पावस, पावसा अुपरांत शीं... येतात वतात... वचपा खातीरूच येतात. तशीं मनशाच्या जीवनांत आनी दुःखां येतात आनी वतात– वा म्हणुंया, वचपा खा[…] येतात.

सुखान मनशान भुलुसून वचूंक जायना. दुःखान नि[…] जायना, थतरवितर जावंक जायचा...

दोनांय पेल्यान वचून तांचे कडेन पळोवंक जाय....

तकली शांत दवरून अलिप्तपणान तीं भोगूंक जाय...

हो रामायणाचो सगळचांत व्हडलो संदेश...

(आकाशवाणी, पणजे केंद्राच्या बरे[…]

कागाळी

— विठ्ठल आवर्दियकार

ाग शिक्षण अधिकारी म्हुणून सांग्यार बदली जावन
गोपाळाक अेक म्हयनो जालो. कामाची वळख आनी
पद्धतीन तांची माण्णी करपाच्या कचेरीतल्या बावरांतच
म्हयनो सोपिल्लो. उपरांत मात फुरसत मेळटा तशी
ाडून तो अेका अेका शाळेचे अहवाल पळवंक लागलो.

ाळचा फायलीं भितर फातर खणीच्या शाळेची फायल चड
ली. ताणी ती कुतूहुलानच उघडली आनी अेका फाटल्यान
ाळयांच्या चिटयांची रास पळवन अजापलो. अेका अेका
धांवती नदर मारतना तांतलो मजकूर वाचून गोपाळाक
ा आयलो. अेक त्या शाळेंत शिकयतल्या शिक्षिकेचो आनी
पाळा पयली ह्या पदार काम करतल्या शिक्षण अधिकाऱ्याचोय
ण अितल्या तोकाच्यो कागाळी करपा अितले ते शिक्षिकेचे
बुरशे म्हुणून तीचो आनी अितल्यो कागाळी जावनयबी
सली म्हणजे कसलीच दखल घेवना म्हुणून अधिकाऱ्याचो
राग आयिल्लो.

धिक चौकशीअंती गोपाळाक कळ्ळे कीं फातरखणीचे ते
िक आंकवार बाई शिकयता. ताणे वेळ वगडायनास्तना
ळेची तपासणी करपाचो निश्चव केलो. शिक्षण क्षेत्रात
णा ताका मान्य नासलो. सुरवेसावनच ताचो नितीमत्तेच्या
ो आग्रो. तो शिक्षक आसतना ह्या नेमाक धरूनच वागिल्लो.
चलणूक बरी दवरील्ली. आनी दुसरो कोणय अनितीन,
ीन वागतल्या शिक्षकाक चार उतरांनी खडसावपाक ताणे
पळवंक नाशिल्लें. आतां तर ताच्या हातांत अधिकारच
. अनैतिकपणान वागतल्या शिक्षकांक अुजू मार्गार हाडपाचे
नोमन थारायल्ले. हे बाईचे प्रकरण ताका बरे पैकीं पयलें
शें दिसले.

ताणे फातरखणी गांवची खबर काडली. ती आयकून गोपाळ बरोच कांचवेलो. अेक म्हळचार हो गांव रानावनात वशिल्लो. फातरखणी वतलो जाल्यार सांग्यार सावन धा–बारा किलोमिटरांचो डांबरी रस्तो हांगामेरेन गाडी वा जीप वता. फुडें सुमार साडेचार पाच किलोमिटरांची वाट पायांनी दोंगर–खडपा माडयत वचपाची जाणकार आसल्याबगर ह्यावाटेन वचप म्हळचार रानांत शेणपाचेंच.

फातरखणीं वचपाची इत्सा गोपाळान कचेरींत उलवन दाखयल्ली मात कितलेशाच जाणांनी कितल्योशोचे खबरी सांगून उडयल्यो. कोण सांगले, साजणेसायब ह्या कचेरींत आसतना साळजीणीम्हुण वचूंक गेलो तो दोन दीस पिवनासयत रानांत शेणून पडिल्लो. कोणे सांगले, थंय वाटेर देंवचारालो वाठार लागता. थंयसावन वतना तो भेसटायता, नाच्च करता. अेका नवोच बदली करून गेल्ल्या म्हास्तराक हांगा किदें किदें भोगिल्ल्याची वर्णना कांय जाणानी सुनायली. कोणे म्हळें हे वटेन वचप म्हळचार रान–वटी सावजांचे भक्ष जावप.

सगळयांच्यो खबरी आयकून गोपाळांचे मत्त जाल्लें कीं ह्याच गजालींक लागून भयान कोणच अधिकाऱ्यान ह्या गावांत वचपाचें धाडस करूंक ना. शेकीं हे बाईक करता तें फावलें. लाख कागाळी करूनय तीचेर कसलीच कारवाय जावंक नाशिल्ली. वा त्या शाळेचो कारभार कसो चल्ला तेंच कोण नकळो आशिल्लो. आसवडी येवन दोन दोन म्हयन्याचो पगार ही बाई वांगडाच व्हरता म्हणपाचे मात गोपाळाक कळ्ळे.

गोपाळय तसो मनातल्यान भियेल्लोच, शार सोडून अशा गावांनी वावरप ताची पयलीच खेप. दुसरे गावांगावांनी असली देनदेवांची अतितायपणा आसताच म्हणपाचे ताणे आपल्या घराकडेनच खुपदां आयकल्ले. तरी आयज फातरखणीकडेन ताणेय दुर्लक्ष केलें जाल्यार ह्या बाईच्या अनैतिकतेच्या चलणूकीची चीड वाडत वतली. आनी कोणे तरी केल्ल्या त्या कागाळींप्रमाण सगळो गांव अिबाडटलो कुसतलो, नवी पिळगीच अनैतिकतेच्या मार्गाक लागतली आशिल्ली. गोपाळान हाचोच विचार चड केल्ल्यान कितलेय मोलाक फातरखणी वचपाचे ताणे निश्चित केले. आनी दीस थारावन वांगडा जाणकार असो गंगाराम पिवनाक घेवन फुडलो बेत थारायलो.

झिपीन ते सुरवेचो रस्तो गेले आनी फुडली वाट पायांनी चलपाक लागले. आमी येतले म्हणपाचेंय गोपाळान बाईक कळंवक नाशिल्ले, ताका अचकित वचून बाईक रेड हॅण्डेड धरपाची आसलो. तो आपल्याच तंद्रेंत चलतालो. सगळे डावपेच ताचे तकलेंत घुरी घालून आसले. ताचे पयलींच्या अधिकाऱ्यांक जें करप शक्य जालें ना तें ताका करून दाखवपाचें आशिल्लें. शिक्षण क्षेत्रांतली भज–भजपूरी आपले परीन पैस करून नितळपण हाडचे आशिल्ले. ताका ह्या नव्या क्रांतीचेच दुवाळे लागिल्ले. तो हे बाईक सुधारपाचो यत्न करपाचो आशिल्लो. आनी लाख सांगून सवरून तिणें आपली चाल चलणूक बदल्ली ना तर कायद्यान जी ख्यास्त फर्माव येता ती तो फर्मावक सोदतालो. तो ह्याच आवेसांत चलतालो.

जाल्यार गंगाराम फायली घेवन फाटल्यान पांय वडीत वतालो. ताका चलपाची उबगण आयिल्ली. पूण बेजारपाची माणसूकी नाशिल्ली. फुडें चलतल्या गोपाळ सायबाक कळत जाल्यार बेटोच चांवार येवार जांतलो आशिल्लो. त्याभायर सायब साप नवो आशिल्ल्यान तो कितल्या कडकपणान वागता हाचोच थाव कोणाक लागूं नाशिल्लो.

गंगाधर अधींमदीं किदेंय उलवचो यत्न करी पुण गोपाळा–कडल्यान ताका जाय तशी साथ मेळनाशिल्ली. आनी मोन्यापोणान वाट सोपूंन सोपनाशिल्ली.

पाऊणवाट सुमार चलून गेले उपरांत, तांका बोकडांक घेवन वजपी दादू गवळी मेळ्ळो. गोपाळ आनी गंगाधराचो भेस पळवन बि. डी. ओ. वा मामलेदाराचे बी कोणय मनीस आसत अशें दिसून दादू गवळ्यानच तांका पयलीं हटकीले. थंयच तांचो सात आठ मिण्टा संवाद जालो.

'काय पावनं कुठें चाल्ल्याती ?'... दादू

'तुमच्या गावां, फातरखणी ?'...

'मामलेदाराची मानसं हाय का हो ?'... दादू

'नारे बाबा, हांव ए. डी. आय. शाळा तपासूंक आयल्यात.'

'शाळा ! आनी ती कशास तपासूंक हवी ?' दादू गवळचान अजापान म्हळें. 'आमची शाळा झॅक बरी चालते. कित्येक वर्षांनी तुमी पाठवलेली बाई बा शान शिकवते मुलाना.'

दादू गवळचाचो अहवाल आयकून गोपाळ थोडो भोव अजापलोच. शाळा बरी चलता, बाई बरी शिकयता, भुरगीं बरीं शिकतात जाल्यार ह्यो कागाळी किदयाक ? गोपाळाक दादू गव–ळचाचे खरें पण येना जालें.

'बाई नेमान येता शाळेंत?' गोपाळान विचाल्लें.

'येयाल काय झाले? शाळेंतच तर बाईचा राबीता आहे...' दादू...

अं ! म्हणजे शाळेंत रावूनच बाईचे उद्देग चाल्ल्यात तर. गोपाळाक सुत गावता कशें जाले.

'बाईची चालचलणूक कशी?' गोपाळचो प्रस्न.

दादू गवळी जाण्टो केस पीको. चालचलणूकीचे काडना फुडें मातसो धेंगशेलो कसो जालो.

'किदयाक ? काय झालां ? बाई शान चारचौगांक मिळून मिसळून वागते. गांवची पोर कशी हून राहिल्या ती.'

'पूण तुमचे बाईविशीं कागाळी केल्यात म्हुणून आयिल्ले आमी चोकशेक.'

'कागाळी आनी आमच्या बाईसंबंधी. हट मेल्यानो !' दादू–

'हय अेक आनी दोन हन्य रासभर चिटी आसात. बाई बऱ्या चलणुकेची न्हय, भुरग्यांक शिकयना. अनैतिकपणा म्हणा' फुडे दादून म्हळें 'हें ते मेल्ल्या सरपंचाचीच कारस्थाना हायतो.'

'सरपंचाची कारस्थाना ?' गोपाळ बुचकळचांत पडलो.

'न्हय न्हय सरपंच बाबू देसाय. भंयझंवरो मेल्लो. सकल्या पोतान जास्ती मेल्लो. आमच्या फुलागत बाईकडे आंगळीक करूंक बधितलीन अेक दोन येळा. बाई बधली ना तेवां हा उद्योग अ

गोपाळ आयकूकच उल्लो. ताणे गंगाधराकडचान फा कागाळी करतल्यांचे नांव पळयले. तें तो बोवाळात विसरिल्लो. आतां पळय जाल्यार सगळचो कागाळचांच्या निनावी.

'उपरांतय दादून सरपंचाच्यो खुबशो करण्यो सांगल्यो. पैशां मालबजार अशिक्षितांक सोरो घालून स आनी असलीं लफडीं करता.' दादून म्हळें–

दादूल्या सांगण्यान आनी निनावी चिटींनी गो मोहिमेंतले अर्द अधिक वारेंच गेल्लें. खरें म्हळचार दुसरो क सावनच फाटीं परतुपाचो. गोपाळाचो सभावच आगळो. दादूचेर किदयाक विश्वास दवरचो. तो सांगता ते अेकान थरल्यार. आनी बाईनच दादू सारकिले मनीस शिकवन अशें आयिल्ल्यांक परतूपाच्या वावराक किदयाक दवरूं नये ? गो मनांत दुबावांचे झुज चल्ले.

अितलें सांगला आसतनाय दादूचो निरोप घेवन गोपा चलत रावलो. तेन्ना गंगधराकय चलपाक पर्याय ना जालो तांका सोपेपणी कशें मुकार वच्चें तें सांगले.

'दादून सांगिल्ल्यो गजाली मनामना घोळयतां ते दो दारांत केन्ना येवन पावले कळ्ळेंच ना. भुरग्यांनी 'नमस्ते' म्हळें तेन्ना गोपाळाची तनरी मोडली. नाजाल्यार तो अि रेखाकच पळयत आशिल्लो. रेखा नायक उर्फ रेखा बाई गोपाळालीच मामेभयण आनी आईच्या आग्रहान ताची घरकान्न जावपाची आशिल्ली.

गोपाळ रेखाक पळवन सामकोच वरमलो. दादूचे अेकान अेक उतर शंभर नंबरी सत आशिल्ले. अेके नदरेंत पारखिले आनी उलवंक जाय म्हुणून ताणें म्हळ्ळे,

'कशें आसा रेखा.'

'बेस बरें !' तें लजेलें.

'तूं हांगा आसा हाची म्हाका शितिदच ना.'

'तुमी बदली जावन प्रोमोशनाचेर सांग्यार पावल्या कळीलें.'

'ह्या दिसानी वेळांत वेळ काडून शाळा पळवन घेतां.'

'आत्या कशी आसा ?'

'बरी, तुजें कशें चल्ला ?' ताणे रेखाची खबर घेतली दोळयां दुकां हाडल दादूचोच पाडो वाचलो.

'बरें आसा हांव पळवन घेन. तूं तुज्या जिवाची काळ असो निरोप घेवन गोपाळ सरपंचाचे तिडकीन कचेरींत पुण करतलो किदें ?

पंदरशी भितर रेखाची बदली सांग्यार केंद्र शाळेंत म्हणपाची चिट रेखाक फातरखणीत पोस्टमेनान पावयली.

देवुळ

– दिनेश भरणो

ुळ एका दुर्गांत बांधील्लें आनिक त्या देवळाक तेंकुन
ांधील्ल्या मनश्याचें एक देवळाकुय ल्हान अशें घर
महाजनानीं एकटांय येवन, पैंशे एकटांय करून बांधुक
तें फकत एका मनश्यान सोताच्या खर्चान बांधील्लें.
सपेसाच्या बळग्यार चलयल्ल्या देवळांकुय हे देवुळ
सोबित दवरिल्ले. भुयेंर काळो आनिक धवो पाषाण
त चकचकतालो. सगळचो वंटी लेव पांचव्या ऑयल
कताल्यो. गर्भकुडीभोंवतडी बरीं एका–देड हाताचो
ा काडपाक दवरील्लो. देवळाच्या वंटीर पुराणांतल्या
त्रां रंगयल्लीं. गर्भकुड ग्लेजड धव्या आनिक मदीं-मदीं
ुल्यानीं सोबित केल्ली. गर्भकुडीमदीं एक धव्या फुल्ल
ठक आनीक वयर चकचकीत अभिषेक पात्र पितुळचें
नीक जड साखळयानी हुमकळायल्लें. आनीक त्या
सोबित कोरिव, सुळसुळीत मुर्त बशिल्ली दिसताली.
डीच्या साईबाबाची आशिल्ली. देवुळ बांधतल्यान तें
वाक ओपिल्लें.

ानीक म्हजो इश्ट अरुण, दोघुय देवाच्या पायां पडुन,
न तिर्थ घालपाक भट दिसता काय पळोवपाक लागले.
क तेंकून एक काश्टी घाल्लो कुडवाळी भायर कालोर
देवळांतली शितळसाण भोगत बशिल्लो. ताका जर
म्हणून विचारत तर तो म्हणपाक लागलो, 'भट
ां मन निर्मळ आसा तर थेट गर्भकुडींत जावन मुर्तीक
हडेन तसलां कांय एक्क ना.'

तिर्थ घेतलें, फंडपेटींत अभिषेक–नैवेदयाचे पैंशे घालून,
राच्या आयदनांत आशिल्ली बिबुथ कपलाक लावन
त गुटलावन घेत पाषाणाच्या चकचकीक, थंड भुयेंर
र जरी आकांताचो कालोर बाधलो तरी भीतर थंड–
साण बाधताली. आमच्या दोघांयच्या मतित एकूच
रोबर उप्रासलो. 'शंभरातले साठ रुपया देवाक ओपून
ताजो वाटार बांधून उरील्लें चाळीस रुपया घराक
पी मनिस कोण ? ताका एदो व्हड साईभक्त जावपाक
ें ?' मुंबय तशें पळेल्यार दर एका झाडाक साईबाबाचें
ता आनीक मुंबय साईबाबाचे भक्तुय खुप्प आसतात.

पुण गोंयच्या पवित्र भुंयेर हो एदो व्हड साईभक्त जल्मलो आनीक घडलो कसो ?' वग्गी कशेंच रावपाक जालेंना. अंती आमी दोघायनीं मेळून कुडवाळयाक मदीं बसोवन, आमी दोशीवाटेन बसून मोवाळ अुतरानीं ताका विचारलें, 'हय गा जाणटेल्या, हें देवूळ बांधलां कोणे ?' 'तेणीं, त्या घराच्या मालकांनीं' त्या कुडवाळयान अुत्तर दिले. 'हय गा ! पुण हें येंदे व्हडलें देवूळ बांधसर त्या मनश्याक बुद्ध कोणेन दिली ?' अरुणान विचारलें, 'देवान ! तेणेंन ! साईन !' कुडवाळयान एका फोर्सान सांगून वडयलें. 'हय गा ! पुण ताका तशेंच किदें तरी कारण आसपाक जाय काय नाका ?' आमी मोठया अुमेदीन विचारले तें पळोवन कुडवाळयान ताळो खांकरून, हात–पाय विस्कळावन गजाल सांगपाक सुरवात केली. सांगतना आमच्या सगळयांच्या तोंडार अुमेद खेळताली.

देवळाचो धनी गोंयकार. पुर्तुगीजांवेळार ते आल्फांतार काम करताले. थंय पाखलेय आशिल्ले. पाखल्यांक एक वायट्ट खोड. मतिन साप्प साधे–भोळे आनीक खावन–जेवन खोशेंत जीण जगपी मनिस. दर म्हयनाच्या अेका तारखेक तांचो अर्धो पगार कापून तांच्या–तांच्या घरा पोस्टान धाडून अर्धो पगार हांच्या सुवादीन करप. मागीर म्हयन्याच्या पयल्या सुमानाक हे खावन–पिवन फोल्गां मारीत राजा कशे भोंवताले. नाका आशिल्लीं अवचिन्नपणा करप आनीक पैंशे काबार करप. मागीर मागप हाजे–ताजेकडेन. ना तर काढप म्हयन्याचे दिस पिरगत, कष्टत. एरवीं जेवण–खाण फुकट म्हण माणुसकी. केन्ना–केन्ना ते हांचेकडेन पांच–धा रुपया मागून घेताले आनीक हेय दरयांत रावन उदकाबरोबर वैर नाका म्हण तांका दिताले. पुण तांका कोणे केन्ना नागयले ना. उलट खोशेन अेका तारखेक पगार हातांत पडतकच उशणे घेतील्ल्या पैश्याबरोबर केल्ल्या उपकाराक जागृत रावन किदेंय एक धाकली वस्त खोशेन बरी ते दिताले. ताका लागून हे पाखल्यांचे एक व्हड इश्ट जावन आशिल्ले.

पुण वेळ आयलो कीं इष्टांच्या कर्तृत्वातूय खस्त भोगची पडटा. अशे एक दिस हे सुशेगाद बशिल्ले आसताना एक पाखलो व्हडा उमेदीन हांचेकडेन आयलो आनिक, 'Oh Senhor ! Come esta seu exeellen-cia ?' म्हणून विचारीत उजव्या हाताची मुठ दाव्या हातार मारली. उजव्या हाताक मुदी आशिल्ली आनिक ताजेर एक तोकांचो देजेंश आशिल्लो. मुठ मारल्याबरोब्बर

कपडयांसुन लेगीत मुठीच्या फोर्सार तो देजेंश हातांत भरलो आनिक दोन–चार थेंबे रगत आयलें. रगत आयलें त्यापरसूय दुख चढ बाधली. दुख सन न जावन दोळयांतसून दुकां येवपाक लागलीं. हें पळवन तो पाखलो साप्प भियोवन रडकुळेक आयलो. हांचे पांय धरुन खंय म्हणपाक लागलो. ‘ किदेंय कर! पुण शॅफीक इतलें मात सांगुक नाका.’ खिण दोन खिण सोताचे दुख विसरत त्या पाखल्याक सांसपीत थापटीत समजायत, शॅफीक सावूदीक बरें दिसना म्हण सांगत ते खंय घरा आयले. घरा आयले. घरा दोतोराक हाडलो. दोतोरान ‘ कांय ना ! कांय ना ! ’ करत दुसऱ्या हाताक एक पॅनसलिन इनॅक्सांव तोपून तो गेलो. त्या रात्चो हांका जोर आयलो, दुसऱ्या दिसा हात सुजलो, तिसऱ्या दिसा फेरीद जावन भितर मातेर जाली. चवथ्या दिसा पॅनिसिलीन इनेक्सावां दिवपी दोतोरान बँ म्हणलें. पंधरा दिसानी गोंयच्या आख्ख्या दोतोरकीन बँ म्हणलें. घरच्यानी हांका मुंबय व्हरचें थारायलें. जरी सरकारी मनीस म्हण पासपोर्ट आनिक हेर गजाली रोकडयो जमल्यो, तरीय पुण मुंबय पावतकच खासा दोतारांनी तांका म्हणलें, ‘ तुमीं खुप्प कळाव लायलो. जीव जाय तर हात कापचो पडटलो.’

हांचेर खंय जीणेंतल्या व्हडांतल्या व्हड प्रसंगाक तोंड दिवपाची पाळी आयल्ली. नोकरी सोडची पडटली तें जालेंच. पुण एका हातान आख्खी उरिल्ली जीण जगच्या परस ती सोंपिल्लीच वा सोंपयल्ली किदें वायट अशें तांका त्या खिणाक दिसलें.

मुंबय बरें मागपी लोक खबरीक येतालेच. तशेच एका बि–रेस्तारा तांका एका साईभक्तान सांगलें, ‘ हें पळयात, एकूण मेळून हात कापचो काय सुटना. तो कापच्या पयलीं एक वेळ शिरडी वचून साईबाबांच्या पायांर घालून घेयात. किदेंय जमलें तर जमलें. हें करून पळेयात.

अशें म्हणतात कीं कॅन्सरच्या तिसऱ्या गतीक पाविल्ल्या मनश्याक वैद्यकीय शास्त्रांनीं बँ म्हणतकच जर कोणूय रस्त्यार वखदांच्यो बाटल्यो आनिक देवाचे फोटो घेवन बसपी मनश्यांकडेन जर धाडत तर जीणेच्या आशेन तो वचपाक खंय तयार जाता. तशें हें जालें. एरवीं हे देवाक इतले मानपी न्हीं आनिक साईबाबा हे कोण तें तांका खबर लेगीत नाशिल्लें.

दुसरे दिसा रेल्वेच्यो तिकिटी काढून तिसरे दिसा शिरडीक गेले थंय साईबाबांच्या पांयार घालून घेवन मागीर दुसऱ्या दिसा परत आयले. मुंबय पावतकच दुसऱ्या दिसा दुसऱ्या अेका दोतोराक हात दाखयलो. ताणें देड म्हयनो घेवन हांचो हात खंय पेखयलो आनीक हे गोयांत परत आयले.

गोयांत आयल्याबरोबर आल्फांदान तांका नुकसान भरपाई म्हण वीस हजार रुपया दिले आनीक सगळो खर्च सोता भोगलो. सगळें जातासर हांचेकडेन चाळीस हजार रुपया गांठीक जमले. ताणीन जागो विकत घेवन अेका गोरज मुर्ताक भूंय पुजेक लावन हें सोबित देवूळ आनीक वाटार बांधून सोताक रावपाक अेक धाकलेशें घर बांधलें. अशी जाली गजाल देवळाची.

पुण इतलें आयकून म्हजो आत्मो शांत जालो देवळाचो वाटार आनीक तांचो साप्प भक्तिन थपथपलेल तर अेका व्हड गिरेस्तान अेक खासा मनिस दवरून स सारको सोबित दवरील्लो. तुळस तर भितल्ल्या वंट चकचकताली. देवळाभोंवतणी भक्तिचें तेज फांकारलेलें. कुडवाळयाक म्हणलें, ‘ हय गा जाणतेल्याऽ, पुण इतल्या हें देवूळ बांधपाक आनीक मागीर राखपाक खासा किदें ?’

‘ हां ! त्यां म्यां सांगूच्याक इसरलों बघा ! जे अेका साईभक्तान शिरडी सावन साईंच्या पायांर घालून सांगलें, त्याच खिणाक ताणीं साईंचे स्मरण करून गा आनीक दुसऱ्या दिसाक तिकीटी काढून तिसऱ्या दिसा बरे तरेन परत इले.’

हांवे बेजार जावन तांका विचारलें, ‘ पण ह्या सगळ कारण त्यां काय ?’

खिण दोन खिण ताणेन म्हजेकडेन हांसून पळेत रा म्हणलें,

‘ जाताना हेंका एकशें चार दिग्री ताप येवन अ खतखतता आनीक हे बडबडतात. तांतूत तांका कुणीन तरी तांची तकली आपल्या मांडयेर ठेवून ती थापटील्ल्या सारक अेदी व्हड वचूंची वाट अवघ्या पांच मिनिटानीं सोंपली कस पुण परत येतानाची वाट सोंपूनूय सोंपना कसां जालां बघ कडेन जाऊन बघतात तर आपल्या मांडयेर तकली दवरप तिसरो कोण न्हुं तर ह्योच साई, साईबाबा, शिरडीके साई

‘ आं ! अशें सांगात, ‘ हावें तृप्त जावन म्हणलें.

मुंबयसून बरे जावन परत आयले ते आपली कुड उरील्ली जीण साईबाबांच्या पायारूच ओपपाक. तांका दिशील्लो. देवांत साई दिशील्ले.

साईबाबानीं जाची तकली आपल्या मांडयेर दवरून थ मनश्याचें दर्शन घेवपाक आमचें दोघांयचें मन आंवडु लागलें त्या जाणतेल्या कुडवाळयाक घेवन तांच्या घरा गेले. गजाल विचाल्लीना. फकद मिश्श्यांनी हासत साप्प थोडय तांची वासपूस घेतली.

तांचो उजवो हात सारको हालतालो. पुण दा घडाळयाच्या लंबकासारको हालतालो आनीक शिरडीच बाबाच्या जागृतायेची साक्ष दितालो. तांच्या उजव्या हा वासीनाच्यो वाटकुळयो मावो आशिल्ल्यो तर दाव्या हा काळी–काळी माव दिसताली. ताणी हातकापें बनयान घाल्लें

तांचो निरोप घेवन आमी वचपाक भायर सरले. दा कडेन पावतकच एकदां फाटल्यान परतुन पळयलें. ह जागृतायेचें तेज फांकारलेलें दिसतालें आनीक तें अेका व्यक्तिमत्व आशिल्ल्या अेका भुरग्या संन्याश्याभशेन दिसतालें

त्या देवळाच्या शिल्पकाराची, शिरडीच्या श्रीसा जमता तितल्या बेगीन भेट घेवपाचें थारावन आमी घरा धरली. अशेंय जायत साईबाबांनूच आमकां आमंत्रण दिवन तशी बुद्ध दिली जावये.

थ

खंत

– माया शेळडेकार

'प्रकाश हांगा वोग्गी उबो राव. मातयेन वोसोनाका आतां चेलो वेळ जालो न्हु. शीत वाळोन येतां हांव.'–

काशाक शिटकावणी दिवन विठाय तुरतुरीत भितर गेलें. शीत खतखतताले. आज शाळेचो पैलोच दिस. प्रकाशाक बेगिन ा जाय. प्रकाशा पेक्षां विठायच चड नर्व्हस जाल्लें.

' पाडापडों ह्या उकडया तांदळाचे. शिजोनशिजनात.' ताणे रून एक लाकूड काडलें. रान्नीत घालें. उजो सारलो. पेट्टी भगभगपा लागली.

देवाम्हऱ्यांत दवरिल्या नव्या बोटव्याचेर ताजी नजर गेली. – बेगिन म्हऱ्यांत गेले. बोटवो उगडलो पाटीकाडी पट्टी चित्र- गळें आसा जाल्यार पळेले. आतां ही चौथी खेप. ताणे रातींच भरिल्लो. सगळें यादीन घालूं जाय म्हूण. पुण ताका बेठोच कितेंय विसरलें जाल्यार ? मास्तरान कितेंय म्हळें जाल्यार ा भुरग्यां मुखार बाबो लज जाऊं जायना.'

आपल्याक शाळेंतले कांयच कळना म्हूण पंदरा दिस पयलींच रुल्या बिनूक विचारुन सगळें घेवन दवरल्यालें. तरी ताजो ोंपना. बोटव्याचे बुतांव लावन ते रान्नीकडेन आयलें.

ताणे दोवलो बुडकुल्यांत घालून शितागोटे वैर काडले. एक वमटेंत धरुन चिड्डीलो– 'जांव पुता जाले एकदांचे–' अशें दोवल्यांतले शीत ताणे बुडकुल्यांत उडयलें. एक तोप विसळुन ऱ्यांत दवरलो. प्रकाशाक शिताबरोबर निंवळ पिवपा जायच, शीत वाळून कोता येना. वावर चड पडटा, म्हूण ते तोपांतच ळटालें.

सगळो निवळ वचसर तें रावलेना. ताणे बुडकुलो रान्नीर 'कोळशे रान्नीत मोडून लाकडां भायर काडलो. उदक मारुन ं. पदराक हात पुसून तें भायर आयलें.

व्या बुशकोटाच्या बुतांवाकडेन खेळत प्रकाश भायर उबो ो. ताणे ताका हाता धरून भितर हाडलो. देवा फोटवा उबो केलो– ' बाबो देवा पायां पड, तेका सांग खुप खुप ी बुद्ध दी म्हुण.–'

काशान देवाक हात जोडले. दोळे धांपून आवयन सांगिल्ले. ते म्हळेंच शिवाय रेवाल्या शाळेंन बेगिन वोचूं मेळचें म्हूण मागलें,' कालच नवें हाडिल्ले जोतें पायां घालता घालतां ताणे आवयक विचारलें– 'आईगे रेवाय की शाळेंत. वैतना देवा कडेन अशेंच मागता?'–' हय बाबो, शाळेंत शिकतल्या भुरग्यानी देवाकडेन अशेंच मागु जाये. चल बेगिन उगत जालो'–

प्रकाशाक भायर घेवन ताणे बेगि– बेगिन दार ओडून घेतलें. कुलुप लायलें. चावी पदरा बांदत तें चलपा लागलें. प्रकाश पयलींच रस्त्यार पाविल्लो. नवो बोटवो गळ्यांत खेळयत. ताजे हाताक धरून ते चलपा लागलें.

प्रकाशाल्या शाळेची स्वप्ना रंगयत चलतलें विठाय कच्च् करून थांबले. मुखावेल्यान रेवाल्या शाळेची तांबडीच. बस वताली. ताणे भियेवन प्रकाशाक पळेलो. तेन्नाच आवय कित्याक थांबली म्हुण ताणे तिजेकडेन पळेले. ताणे म्हळें– 'आई चल मगे बेगिन, उगोत जातलो. मागीर म्हाका घेवचेना शाळेंत–' अशें म्हणत ताणे उमेदीन पावल मुखार घालें. ते बरोबर सू म्हुण खुशाल भरित जावन विठाय नवे उमेदिन चलपा लागलें.

नव्या बोटव्याकडेन खेळत चलतल्या प्रकाशाक पळोवन चार दिसा पयलीं खुबिल्या प्रकाशाले रुप ताजे दोळ्यामुखार आयलें.

दोनय पांय आपटीत प्रकाश रडतालो. मुखार दवरिल्लो उणो आनी च्याक सुद्धां आज तो पळय नासलो. ही शाळा ताका कशीच नाका आसली. चलत वचून चलत येवपी शेजाऱ्यालीं भुरगीं तो पळेतालो. ताका रेवाभशेन तांबडयाच मोटारींत बसून शाळेंत वचुं जाय आसलें.

ताजी समजूत घालतासर विठाय घामेल्यालें. पुण ' गुन्याव म्हाजोच,' म्हण ते वोगी रावलें.

रमाबायगेर वावराक वतना ल्हानल्या प्रकाशाक तें व्हरतालें. ताजे पेक्षां मात्सें व्हड रमा बायलें रेवा. ताका खेळपाक प्रकाश मानवतालो, ताजे सगळे हुकुम आयकुपी आनी तें सांगता तशेंच खेळपी.

विठाय प्रकाशाक निवळ दवरतालें. ते हाणें रमाबायक रेवा–प्रकाशालें खेळप कोता येतालें. शिवाय भायर कोणाच्याय भुरग्यां-बरोबर वचुन खेळच्या पेक्षां घरांत बरें म्हुण ती खेळपा दिताली.

रेवा आनी प्रकाश ल्हानपणापासून बरोबर वाडिल्ल्यान बरीं इश्ट जाल्लीं. रेवाक पोरुंच्यान शाळेंत घाल्लें. ताज्यो सगळ्यो नविदादी तें येवन प्रकाशाक सांगताले. ताजे इल्लेशे दोळे अजापान व्हड जाताले.

फेर्रीद कपडे, चकचकीत बुट, आनी टाय घाल्ली रेवाची मूर्ती आनी ताज्यो अजापाच्यो खबरी. प्रकाश अजापून वतालो. केन्ना रेवा घरा येता आनी खबरी सांगता अशें ताका जातालें. ताजी वाट पळेत तो दारांत बसतालो. बस थांबतकच धांवत वचून पोरसाचें दार उगडटालो. रेवाचें बॅक घेवन ताज्यो नवीदादी आयकत ती घरांत येताली.

रेवाल्या ह्या खबरींतल्यान ताणे शाळेंविशीं अेक वेगळेंच स्वप्न रंगयल्लें. शाळा म्हळयार आई रातचें... सांगता त्या काणयालतलो परयांचो म्हाल कसो दिसतालो. तांतुतली राजकुमारी रेवा तर

पयलींच शाळेंत वता. ताजेभशेन तोय फेरीद कपडे घालून बूट-टाय घालून शाळेंत वतलो. तांबड्याच बांकित बसतलो. हें स्वप्न ताणे कितलेशेच फावट पळेलें. पुण रेवाक सुद्धां केन्ना सांगू नासलें. तें हांसत म्हूण ताका भंय दिसतालो.

ताज्या ह्या स्वप्नात न कळटां रंग भरपाचें काम रेवा खुपदां करतालें. फुडल्या वर्सा दोगांयनी शाळेंत वचप आनी कितें- कितें करप हाजें बेत बरेच वेळा ताणी केल्लें.

शाळेविशी अशी गोड समजुत आशिल्या प्रकाशाक केन्ना- केन्नाय ताजीं शेजारची भुरगीं तांच्या शाळेच्यो खबरी सांगतालीं. ताचे मारकुऱ्या मास्तराच्यो खबरी आयकून प्रकाश कांचवेतालो. असल्या शाळेंत क्वपना असो ताणे निश्चेव केल्लो. त्या आपल्या इश्टांकय तो आपल्या अर्थात रेवाच्या शाळेंत येवपाचो आग्रो करतालो.

ताजे इश्ट म्हणताले– 'शी, नारे बाबा, ती शाळा आमच्या असल्यानी वचपा न्हू.'...

प्रकाशाक अजाप जाताले 'अशें कितें म्हणतात हे पिशे कशे, काय बरें रेवा वता, तशें हे गेल्यार किते जातलें ?'

ताणे एक दिस हो प्रस्न रेवाकय विचारलो. रेवाक अजाप जालें. ताणे तांका पिशांतच काडले.– 'आमची शाळा खुप व्हड आसा, कितलेय जाणांक बसपाक जागो मेळतलो म्हूण सांग तुज्या इश्टांक–' रेवान म्हळें.

आपल्या वाड्यावेल्या इश्टांकय आपले बरोबर रेवाल्या शाळेंत वचूंक मेळतले म्हूण प्रकाश खुशालभरित जालो. ताका केन्ना घरा वतलो आनी इश्टांक सांगतलो अशें जालें. तो परतून परतून भितर येवन आवयले काम सोंपले काय पळेतालो. ताच्या मनाची धालामेल समजुनाशिल्या विठायेले काम सुसेगाद चलिल्लें.

रमाबायगेर रातचे सोयरे येवपा आशिल्ले. सगळें काम जाग्यार घालून येतासर विठायेक रात जाली. प्रकाशाक झेम येवपा लागिल्ली. पुण मनातल्या हुरूपान ताका जागो दवरल्यालो.

रस्त्यारच ताणे आवयक सांगले– 'आई, हांव आतां व्हडलो जालो न्हू, रेवाच्या शाळें वैतलो हां '–

आवयक तोखणाय दिसली. तिणे अपुरबायेन म्हळें– 'हय बाबो, तूं आतां व्हडलो जालो. शिवराम मास्तराक विचारून तुका शाळेंत घालुंया '–

–'हें, शिवराम मास्तर मारकुरो. तेगे शाळेंत हांव वयचो ना. हांव रेवाल्या शाळेंत वैतलो–' प्रकाशान सांगले.

रात वाडिल्ली. रातचो बोवाळ नाका म्हूण फाल्यां पळोवया म्हूण विठायेन ताका भान डायलो.

ताणे मनात गांठ घाली, ' फाल्यां मास्तराक मेळोवन घेवचो पडलो, बाबो आतां खरोच व्हड जाला.'

दुसऱ्या दिसा ताणे मास्तराक मेळून सगळें थारायलें. शाळा सुरू जावपाक १५–१६ दिस आशिल्ले. आपल्याक नवो बोटवो, कालसांव बुशकोट मेळळा तें पळोवन प्रकाश खुश आशिल्लो. आपुण खंयच्या शाळेंत वतलो तें मात ताका खबर नाशिल्लें.

प्रकाश नवो बोटवो घेवन शेजारच्या शंकराक दाखोवंक गेलो तेन्ना थंय ताका कळलें, तो खंयचे शाळेंत वतलो तें. तो रा[illegible] घुस्मटत घरांत आयलो. बोटवो नवो पळेनासतना ताणे आवय[illegible] पांयार शेंवटिलो. आनी दोनय, पांयाचेर थयथयाट करपाक सुर[illegible] केली.

ताका फुसलायतासर विठाय घामाघुम जालें. निमणें [illegible] सांगले– 'तूं आजून ल्हान आसा बाबो, व्हड जातकर तुका रेवा[illegible] शाळेंत घालतलें हां'–

आपल्याक व्हड जातकर रेवाल्या शाळेंत वचूंक मेळट[illegible] आयकतकीर तो कसो–बसो वोगी रावलो. आनी विठायेक अ[illegible] जालें. मनात धाकधुक आशिल्लीच– 'शाळेंत वेता तें दिसा [illegible] करिना जाल्यार पुरो, देवी दर्शनाक घेवन येतां तेंका–' अशें म्ह[illegible] दोनय हात जोडून ताणे दोळे धांपले.

दुसऱ्या दिसा ताणे अेक केलें ताका रेवागेर व्हेलो[illegible] शेजाऱ्यांगेर तांका सोडून तें कामाक गेलें जड मनान.

प्रकाशाचें भुरगें मन शेजारच्या इश्टांकडेन खेळतना रेवा[illegible] शाळेक विसरलें. नव्या पुस्तकांतली चित्रां पळोवन आनी अपुप[illegible] काडी–पाटी पळोवन ताका केन्ना शाळेंत वतलो अशें जाल्लें.

विठायेचे मन मात आकुळ–पिकुळ जाल्लें. तो म्हयन्य[illegible] किट आसतना–ताजो बापुय गेल्लो. तेन्ना साकून ताका ते जीवा[illegible] सांबाळताले. आपल्याक शक्य त्याप्रमाणे ताजी आवड नि[illegible] पुरयतालें.

– 'पुण रेवाच्या शाळेंत ? थंय कशें घालतलें?' तेजो ब[illegible] आशिल्लो जाल्यार पोटाक चिमटो काडून घालूं येतालो. म्हा[illegible] अेकट्याच्या जोडीन कितें जातलें?'– ताणे सुस्कारो सोडलो.

आज ताका परतून–परतून ताज्या बापायची याद येता[illegible] रेवाच्या शाळेंतच प्युत्र आशिल्लो तो 'आपल्या भुरग्यांकय [illegible] शाळेंत घालपाचे ' हें ताणे विठायेक कितले वेळा सांगिल्लें. त[illegible] इच्छा तें पुरी करूंक शकना ह्या विचारानी तें कासाविस जातालें.

विचाराच्या भिऱ्यांत भिरभिरतल्या विठायेक प्रकाशान [illegible] केलें. ती शाळेंकडेन पाविल्लीं.

–'आई तूं हांगसर राव, हो पळे शंकर ताज्या वांगडा [illegible] हांव–' प्रकाशान म्हळें.

–'नाका बाबो, राव, हांव येतां–' अशें म्हणत दोन पा[illegible] मारतनाच विठायेन पळेंले, ताजो हात सोडून प्रकाश केन्नाच शंक[illegible] बरोबर गर्दींत नाच्च जालो. ताणे हेवट्यान तेवट्यान नदर माल[illegible] कांय आवयो रडतल्या भुरग्यांक थांबयतालीं. कांय जाणा हुस्क्या[illegible] पैस उबीं आशिल्लीं. भुरग्यांची रड आनी बोवाळ. सगळोच गों[illegible] चलिल्लो.

आज प्रकाशालोय पयलोच दिस. फाटलें सगळें त्रिसरून [illegible] हांसत गेलां. मुमरख्या तोणान सगळ्यां पळैत हुस्क्यामेकळें विठ[illegible] फाटी सरलें. प्रकाशालीं फुडलीं स्वप्नां रंगयत ताणे रेवागेर वचपा[illegible] वाटेर पावल घाले...

–[illegible]

गोंय कोणाचें ?

— शांताराम वर्दे वालावलीकार

मोगाळ प्रजाजनांनू, आयज्ची ही सभा आमी खूब विचार
रून आपयल्या. हाजे आदीं आमच्या व्हड व्यापाक लागून
मकां विचार करपाक केन्नाय वगत मेळ्ळो ना. तरीपुण
ठांत वेळ काडून आमी विचार केलो आनी हे सभेची येवजण
ली. आज चोंयवशेंतल्यान आमचेर दबाव येता आनी
यचें घटक राज्य जावंक जाय. गोंयची भास राजभास
वंक जाय बी अशेतरेची मागणी जाता. हे गजालीची
डणूक अेकदाची ह्या दोन वर्सांभितर जावंक जाय अशें
मचें मत्त आसा. गोंय कोणाचें आनी गोंयची भास खंयची
जे विशींचो सबळ आनी अुक्तो पुरावो तुमी आमचेकडे
डून दिलो जाल्यार सारकी चवकशी करून हो प्रस्न
डोवपाची आमची तयारी आसा पुण आमकां तुमच्या
हकार्याची गरज आसा. लोकांचें सहकार्य मेळनाशिल्ल्यान
तलेशे प्रस्न सुटनासतांना अुरतात. अेक मनीस खून करता
नी पळून वता. सरकार किदें ह्या खुन्याच्या फाटल्यान
वतलो ? ज्यांनीं ताका खून करतांना पळेला ताणीं फुडें
वन सरकारामुखार पुरावो दवरूंक जाय. मागीर आमी त्या
न्याक ख्यास्त भोगयतले. नाजाल्यार मागीर जाता कितें
स जाळटा अेकलो आनी धरप जाता दुसऱ्याक. तुमी अेक
णात. पुलीस म्हळ्यार देव न्हय, तांका अंतर्ज्ञानान कोणें
स जाळ्ळया म्हणटा तें कळना. हीच गजाल भ्रष्टाचाराची.
ोणें कोणें पैसो खाला, पैसो केला. हाजे प्रोव्ह तुमी आमकां
दयात आनी मागीर पळयात ह्या गोंयची नुरा कशी बदलून
ता ती. जांव. पुण आयची ही बसका गोंयची नुरा बदलपा-
ातीर न्हय तर नुरा आदींच बदलल्या देखून खरेंच गोंय
ोणाचें आनी ताजी भास खंयची हें थारावपाक आमी
ापयल्या. सरकारचीं अुक्तीं आनी भितल्लीं अशीं दोनूय
त्तां तुमकां येन्नातर खबर जाल्यांच आसतली. तेन्ना तुमचीं
त्तां अुक्तेपणान मांडटा आसतांना गोंय कोणाचेंय आसलें
री सरकार आमचेंच आसतलें अितलें मतींत धरचें.

लोवपी : आतांच सरकारान सांगलां ताका म्हजो तेंको आसा.
म्हज्या भुरग्यापणासावन म्हाका अेक खबर आसा किं राज्य
रकार चलयता. म्हण्टकच गोंय कोणाचेंय आसलें तरी
ाज्य सरकारचेंच आसतलें. खंयचोय पक्ष राज्यार येंव.
रकारूच राज्य चलयतलो हें सांगपाक ज्योतिषाची गरज
ासा अशें म्हाका दिसना. आनी निमाणें राज्य जर
रकाराचेंच आसतलें तर गोंय आमचें म्हणपांत किदें आदाव
ासा ? तेन्ना सरकाराचें जें भितल्लें मत्त आसा ताका धरून
ांव अशें जाहीरपणान सांगूंक सोदतां किं गोंय आमचें न्हय.
रकार सांगीत ताजें गोंय आनी सरकार म्हणीत ती गोंयची
ास.

चारपांच अ.वाज : तूं स्मगलर ! तुका गा गोंयचें कितें पडलां ?

दुसरो अुलवपी : आमी गोंयकार सोशीक म्हूण इतले दीस तुमचें फावलें. आमीं चळवळ करून विलीनीकरण आडायलें पुण तुमकां सरकारपण भोगपाक मेळ्ळें नाजाल्यार तुमची खंयचीय अेक ग्रामपंचायत आसपाची. तुमचें सरकार आमी घडयलां. गोंयकारांनीं घडयलां. जांकां सरकारां घडोवपाक येतां तांकां आपली भासूय शिवासनार बसोवपाक कळटा. देखून तुमचे मुखार पुरावे मांडून गोंय आनी गोंयची भास हाजेर भासाभास करून वेळ व्हगडावचे बदला तो वेळ आमी आमचे भाशेक आनी गोंयाक दितले आनी गोंय आनी गोंयचे आड वावुरपी सरकार आनी ताच्या चमच्यांक तांकां फावो तो जागो दाखयतले. देव सरकाराक बरी बुद्ध दीव.

तिसरो अुलोवपी : हांव बाजारांत निसतें विगपी. कितलीं वर्सां जालीं हांव आनी आमचे गांवचे लोक पणजे बाजारांत निसतें विगता आमी पात्रांव, पोटाक हिंगा येयला. आमचो गांव पयस आसा. हैदराबादेक पुण आतां आमी गोंयचे जाला. गोंय आमचे जालो. आमकां हींगा रावता आमचे भुरगो हिंगा रावता. आमकां तुमचे सारको अुलोवंक येना म्हण आमची भास भी राजभास जावंक जाय.

चवथो अुलोवपी : आम्ही साडेचारशीं वर्षे पोर्तुगीजांच्या जुलूम सहन करून मराठी जीवंत ठेवली. आम्ही मराठी संस्कृतीत वाढलो. ज्ञानेश्वरी मराठीत लिहिली. आणि आता तुम्ही सांगायला आलात गोव्याची राजभाषा कोंकणी म्हणून ? आमचा त्याला सक्त विरोध आहे. आम्ही कोंकणीच्या विरुद्ध नाही पण आम्ही तिला बोली मानतो. खुद्द संत ज्ञानेश्वर कोंकणीच्याविरुद्ध नव्हते मग आम्ही कसे असणार? ज्ञानेश्वरीत कितीतरी कोंकणी शब्द सापडतात पण ते तिथे बोली म्हणून वापरले आहेत असे परवा डिचोलीत आमच्या जयसिंगराव राणे यांनी पाचशे लोकांच्या प्रचंड सभेंत सांगितले ते काय खोटें? आणि तुम्ही बाता मारता त्या मात्र खऱ्या ? त्रिवार नाही यावश्चंद्र दिवाकरौ आम्ही कोंकणी भाषा होऊ देणार नाही. जय महाराष्ट्र.

पांचवो अुलोवपी : गोंय कोणाचें भास खेंची ? हाजीं झगडीं नाकात. ती झगडी कोणाक प्रोफीटाचीं ना. हांव केरळाचो मनीस कालापुरा रावतां हावें कालापुरा जागो घेतला. घरां बांदल्या आनी गोंयकारांक भाड्याक दिल्या. आज हांव मालक आनी गोंयकार म्हजे टेन्न्टस आसात. गोंय कोणाचें हे सांगपाचें आज म्हजें सामके जीबेर येता. पुण आजूच ह्या वादांत हांव पडना. हे सांगपाचो म्हजो रायट आज नाजाल्यार आनीक पांच वर्सांनी तुमकां मानचोच पडटलो इतलें श्यूअर आसा. म्हणून आज हांव ओगी बसता. आनी सरकाराफाटल्यान आमी सदाच आसतले अशे प्रामीस दितां.

सवो अुलोवपी : हांव कोंकणीचे चळवळींतलो मनीस. आमी कोंकणीची चळवळ चलयतात तें धंदो म्हणून चलयनात तर आमचे धंदे सोडून ही आमकां चलोवची पडटा. कोंकणी ही गोंयची भास हे अुजवाडा अितलें घणघणीत आसून लेगीत

कांय जाण दोळयांक काळीं वकलां लावन बसतात. आनी तांका अुजवाडांत काळोक दिश्टी पडटा.

आमच्या नशिबानसार आमकां काळ्या वक्लाचे सरकार मेळ्ळें. आनी सांद्या सरळ प्रस्नाचो घोळ जावन पडलो. कोंकणीची राजभाशेची मागणी ही तिज्या हक्काची मागणी. ती दीवप कोणाक चुकपाचें ना. ती आडावपाचो यत्न जे सरकार करता ताका हाताक धरून आमी शिंवासनावेले सकयल देंवयतले. कोंकणीची चळवळ ही गोंयच्या पुराय स्वातंत्र्याची आनी म्हणूनच गोंयचे अुदर्गतीची चळवळ. जो जो कोंकणीच्या आड वावुरता तो तो गोंयचे अुदर्गतीचो शत्रू अशें आमी मानतले. देखून तुमकां सगळयांक निमाणची शिटकावणी. असले सेमिनार घडोवन आनी प्रोव्हां अेकठाय कश्पाचीं सवंगां करून राजभाशेंचेर वेळ व्हगडावपाक आमी तुमकां आतां दिवचे नात. आमी शिंगा दाखोवन तुमचेकडल्यान पुजा करून घेतले.

सरकार : आतां मेरेनचीं सगळीं अुलोवपां आयकतकच ह्या प्रस्नाच्यो सगल्यो बाजू आमकां कळून आयल्यात. आनी हो प्रस्न दिसता तितलो वैलो वैलो न्हय तर हातून गोंय, महाराष्ट्र, केरळ आनी आंध्र ही राज्यांलेगीत घुस्पल्यांत हाजो दिष्टाव आमकां आतां जाला. आनी गोंयच्या अेकूणूच प्रस्नाचेर बरो विचार जांवक जाय हाजी जाणविकाय आमकां जाल्या. हाजेर आमी हाजे आदीं केन्ना विचारूच केलो ना. खरेतर आमचें राजकारणांत अकस्मात येंवप जालें. राजकारणात भितर सरचे आदीं आमकां गोंयचे कांय पडून वचूंक नासले. ताका लागून गोंयचेर केन्ना विचारूच केलो ना. अेकदीस अकस्मात अेक आपोवणो आयलो आनी आमी राजकारणांत भितर सल्ले. आनी थंय तुमकां खबर आसा. म्युझीकल चेअरच्या खेळाक लागून हेरकडे आनी खंय लक्ष दितलो आसलो? पुण जांव आयच्या ह्या बसकेक लागून ह्या प्रस्नाचेर तुमचीं मत्तां आमकां समजलीं, हातूंत कोंकणीचे लोक सोडल्यार हेरा कोणेंच सरकाराक विरोध करूंक ना ही खोश्शेची गजाल. कोंकणीच्या ज्या लोकांनी सरकाराक नालायक म्हणलां तांका आमी शिटकायतात कि ते आमकां वळखनात. आमी अेकदां तांची फाट घेवंक लागत जाल्यार तांका गोंय सोडून वचचे पडटलें...

सभेंतलो आवाज : तुमीं किदें फाटीक लागतले? आतां आमीच तुमचे फाटी लागतल्यात. तुमकांच फाट करून पळचें पडटले.

दुसरो आवाज : गोंय आमी सोडचे नात तुमकां तें सोडून वचचें पडटलें. ह्या स्मगलरांकवी बराबर घेवन.

तिसरो आवाज : मतां मागतांना गोरूं जावन येतात आनी आतां धमक्यो दितात. राव तुमकां दाखयतां.

कितलेशे चवथो आवाज : कोंकणी राज्य भास जांवकूच जाय. गोंयचें जाय घटक राज्य.

(बोवाळ वाडत वता वेदीवेले लोक नाच जातात.)

-▣-

...की खेळ

...न खेतीं : शाणीं सुरतीं

– प्रकाश थळी

...अेके कॉलेजीच्या हॉस्टेलांतलो कॉमन रुम. स्टेजीचे अजवे ...केदलां. तांचे मदीं अेका वाटकुळच्या मेजार वर्तमानपत्रां ... अस्ताव्यस्त पडिल्ले आसात. मेजाफाटल्यान फायलीक ...टेजींत भितरमेरेन येवपी अेक ल्हानसो आंतेपार (पार्टीशन) ...टेजीचे दावेवाटेन अशेंच अेक ल्हानशें पार्टीशन निमाणे ... जोडून आसा. ह्या आंतेपारा फुडें पुस्तकांची अेक ल्हानशी ..., अेक रेडिओ बी सामानय आसा. ताचे फुडल्यान अेक ...नी मुखार अेक टिपाय. स्टेजीचे मदीं फाटसार अेका मेजार ... आसा. पड्डो अुगडटा तेन्नां रेडिओचेर संगीत आयकूंक येता. ...्या रॅक्टरालें कुडुं चली स्टेजीचे दावे वटेंतल्या कदेलार बसून ...ी विणटा.)

...(पावलांचो आवाज आयकून) कोण? कोण आयलो? कोण ...उलयना कित्याक? उलोंवक येना काय म्हण्टां हांव ? जाप ... दिना ? (स्टेजीर मेनेो सुभाष येवन अेक पासय मारता ...जा वयले आंक बी चाळून परतो वता. कांय खिणां भितर ...वण स्टेजीर शिळोणी घालीत प्रवेश करता. अेक पासय मारता. ...ळटा. हेवटेन तेवटेन पळयता आनी परतो वता) कोण थंय? ...यला काय म्हणटां हांव ? उलयना कित्याक? तुका आयकूंक ...व किर्ते म्हणटां तें ? अजापूच शें !

...(श्रवण गेल्या उप्रांत गोविंद आनी ताचे फाटोफाट अतुल ...येतात.)

...कोण थंय ? कोण आयला ?

... : (अतुलाक) यो. हांगा बसूया आमी. (दोगूय स्टेजींच्या ...टेंतल्या कदेलांचेर बसतात.)

...कोण गोविंद रे ?

... : हय, हांव तो. कित्याक अुळो माल्लो ?

...तुका मेळपाक कोण आयिल्लो. वांगडा अेक बायल मनीसूय ...ी. तुजेकडेन किर्ते तरी काम आशिल्लें खंय.

... : म्हजेकडेन काम आशिल्लें ? कोण आयिल्लो म्हळें ?

...हांवें नांव विचाल्लें ना. पुण म्हत्वाचें काम आशिल्लें अशें ...ी.

... : म्हत्वाचें काम? आनी म्हजेकडेन? किर्ते रकाद बी दवल्ला? ...ना परती फावट मारतां म्हळां.

... : बरें आसा, येतलीं तर मागीर. (अतुलाक) हां, तर येदोळ ...तें म्हणटालों? तूं ताका मात्तय नाका.

नेत्रा : कोणाक ?

गोविंद : हांव हाचेकडेन अुलयतां हां. (अितलो वेळ अतुल अेकसारको नेत्राकडेन पळयत आसा.) आरे हां. हें नेत्रा आमगेल्या रॅक्टरालें चली. (नेत्रा अुठून नमस्कार करता. टिपॉयाक आपटता.) सांबाळ, हां नेत्रा. पडशीत. हांगा टिपॉय आसा. (अतुलाकडेन पळोवन) बाबड्याक दिसना.

नेत्रा : बरें केलें. ताका खबर नाशिल्लें म्हजें व्यंग सांगलें आनी वयल्यान 'बाबडें' म्हणून म्हजी काकुळटूय केली.

गोविंद : सॉरी हां नेत्रा. म्हाकां तशें म्हणपाचें नाशिल्लें. तुका वायट दिसलें. व्हेरी सॉरी. (परतो अतुलाकडेन वळून) तर हांव तुका किर्ते सांगतालों? हय तूं ताका मात्तूय आवडना. तुवें जर, ताची फाट सोडली ना, जाल्यार सांबाळ म्हाका पुलीशेंत कळोवचें पडटलें. तुका दिसता आसत, हांव पोकयो फटाशो मारतां म्हूण. पुण आतांच सांगून दवरतां म्हजेकडेन पुरावो आसा. (बॉल्सांतल्यान अेक कागद काडून दाखयता) हो पळय. (अतुल झोंपय मारपाचो यत्न करता) हां हात लावं नाका. पयसुल्यानच पळय. (कागद परतो बोल्सांत दवरता. अतुलाच्या मेजार दवरिल्ल्या लायटराकडेन लक्ष वता) आरे, बरो लायटर मरे! किर्ते रे, कोणालो फारायलो!

अतुल : फारावंक ना. फारावपाची तजवीज आसा.

गोविंद : जाणा रे, खबर आसा. तुजोच हो लायटर. व्हडलो फारावपी जाल्लेवरी ! हे किर्ते ! तुजें नांवपसून आसा हाचेर. (सकयल आशिल्ल्या अेका जायरातीकडे ताचें लक्ष वता.) आरे, ही जायरात आनी कसली? वा, ही सिनेमाची जायरात Dial 'M' for murder. (जायरात काडपाक बागवल्लो आसता तेन्नाच, अतुल गळ्यांतलो स्कार्फ काडटा आनी गळो आवळून गोविंदाचो खून करता, अतुल लायटर थंयच विसल्ला. तो गोविंदाच्या बोल्सांतलो पुराव्याचो कागद काडटा आनी ताचो मुडदो स्टेजीच्या अुजवे वटेतल्या पर्टीशना फाटल्यान उडयता. चोर पावलांनी भायर वता आसतनाच भितर सरपी सुभाषाक ताचो धक्को लागता. फाटल्यान रोखडोच श्रवणूय आयला. दोगूय चलत चलत स्टेजीचे उजवेवटेन पावल्यात. आतां हाचेफुडें सुभाषाचें चडशें अॅक्टींग, स्टेजीचे उजवे वटेनच्या जाग्यार रावन जाता. सुभाष–श्रवण आनी नेत्रामदीं संपर्क सादून रावपी सवंग !)

नेत्रा : कोण आयला ? कोण थंय ? कोण ? (सुभाष कुरवांनीं श्रवणाक सांगता.)

श्रवण : नमस्कार.

नेत्रा : (उबें रावन हात जोडटा) नमस्कार.

श्रवण : हांव श्रवण. तुजें नांव किर्ते ? (आयकुपाचो पिशेपणाचो प्रयत्न करता.)

नेत्रा : म्हजें नांव नेत्रा. (श्रवणाक कळूंक ना. सुभाष ताका आपणां म्हऱ्यांत आपोवन व्हरता आनी कुरवो करता.)

श्रवण : भोंवयो ? दोळे? नदर? नयन? नेत्र? हां हां नेत्र. तें नेत्र, तें नेत्र, हां हां नेत्रा. (सुभाष कुरवांनी हय म्हणटा) तुजें नांव नेत्रा?

नेत्रा : हय, हांव नेत्रा. तूं कवी–बिवी काय किर्ते? म्हज्या नांवाचीं कितलीशींच उतरां तुवें उलोवन दाखयलीं. खेऱ्यांनींच तूं कवी ?

(सुभाष कुरवांनी सांगपाचो यत्न करता.)

श्रवण : पुस्तक ? पद? पुस्तकांतलें पद? कविता? खाड? चंद्रीम? कविता खाड– चंद्रीम? हां. हां, कवी! न्हय न्हय, हांव कवी न्हय ! हांव चित्रकार आर्टिस्ट. तुका चित्रां आवडटात?

नेत्रा : चित्रां कोणांक आवडनात ? (सुभाष कुरवांनी 'ताका चित्रां आवडटा' अशें सुचयता)

श्रवण : पुण तूं हांगा चल्यांच्या हॉस्टेलांत कशें पावलें ?

नेत्रा : म्हजो बापूय हांगा रॅक्टर म्हणून आसा.

(सुभाष कुरवांनी हें श्रवणांक कळोवपाचो प्रयत्न करता)

श्रवण : तकली? केंस? बॅट्री लायट? पेंसिल ऑफ लायट? रेय, रेय, रेय नेलकटर? हां कटर. रेय कटर, रेय–कटर. हां हां रॅक्टर, व्हडलो! उंच! हां बापूय. तुजो बापूय हांगा रॅक्टर आसा ?

नेत्रा : हय ताचेंच चली हांव. घरांतली सगळीं जाणा भायर सल्यांत हांव रेडिओ आयकतां. म्हाका पदां खूब आवडटात.

(सुभाषाच्यो कुरवो)

श्रवण : हां. हां संगीत तुका बरें लागता?

नेत्रा : हय. तो रेडिओ मात्सो बंद करता ? कार्यावळ सोंपलीशी दिसता.

(सुभाष कुरवांनी श्रवणाक 'रेडियो बंद कर' अशें सांगता; पुण ताका तें सारकें कळूंक ना. तो रेडियो म्हऱ्यांत वता आनी म्हण्टा)

श्रवण : हां. रेडियो. बरो आसा हां तुमचो रेडियो. खंय घेतिल्लो म्हळें? फिलीप्स काय किंतें ?

नेत्रा : हय. Philips चो. हांवेंच घेतिल्लो. मात्सो बंद करता ? स्टेशन बंद जालांशें दिसता. (श्रवणाक आजुनय कांय कळूक ना. तो रेडियो तोखेत आसा. सुभाष स्वता येवन रेडियो बंद करता.)

श्रवण : चालू आशिल्लो? म्हाका सांगपाचें न्हय? हांव बंद करतलों आशिल्लों. नेत्रा तुका चित्रां आवडटात न्हय ? हांव तुका म्हजीं चित्रां दाखयतां हां! (अेक कदेल हाडून नेत्राच्या सामकाराक दवरता. ताचेर बोटव्यांतलें अेकेक चित्र दवरून दाखयता.) हें जें आसा न्हय, तें Black and White आसा, आनी हें जें दुसरें आसा पळय तें चार रंगांचें.

नेत्रा : Colour Combination बरें जमलां.

श्रवण : अशीं जायतीं चित्रां काडटां हांव. पुण किंतें जालां, हालीं म्हाका चड वेळ मेळनां. पुण हें बरें जालां शें दिसता. म्हाका स्वताक आवडलें. बरें एक सांग, Colour Combination कशें जालां?

नेत्रा : सांगलें न्हय, Colour Combination अेकदम बरें जमलां (सुभाष कुरवानी समजायता.)

श्रवण : नेत्रा, तुका खंयचे रंग आवडटात ?

नेत्रा : म्हाका मूं ? म्हाका जाल्यार अेका धव्या रंगांत सातूय रंग दिसतात.

(सुभाषाच्यो कुरवो)

श्रवण : लेंस, धवो लेंस, धवो रंग सात, धवो– रंग– सात, धव्या रंगात, सात, हां, हां, म्हणजे तुवें Physics घेतलां तर ! इंद्र–धनुष्यांत दिसतात सात रंग ? तूं खंयचे कॉलेजींत शिकता ?

नेत्रा : हांव धेंपे कॉलेजींत शिकतां.

(सुभाष कुरवानी सांगता.)

श्रवण : चलता ? दांग मारता, हां हां धेंप, धेंप. पुस्तक, शाळा, व्हडली शाळा. कॉलेज कॉलेज. धेंपे– कॉलेज. ह[illegible] कॉलेज. तूं धेंपे कॉलेजींत शिकता तर ! तूं खयचें ?

नेत्रा : आमचें घर फोंडयां तिस्कार.

(सुभाष कुरवानी श्रवणाक समजायता)

श्रवण : खण्टा ? खळगो, व्हाळ ? खळी ? किरिस्तांव.. पुल्लो तो जागो. हां–हां फोंड तें हां हां फोंडेचें ?

नेत्रा : हय, हांव फोंडेंचें, तूं खंयचो ?

(सुभाष श्रवणाक प्रस्न सुचयता पुण तांका ते कळू[illegible]

श्रवण : तकली ? घुंवल्या ? म्हजी ? हँ ! आँ ? पिसो, [illegible] पिसो Crack ? Fool ? Mad ? (सुभाष 'हय' अ[illegible] वांनीं सांगता) लोक ? समाज ? खूब लोक ? गांव ? [illegible] 'हय' अशें शिटकायता) मड–गांव, मड–गांव हां हां [illegible] हांव– मडगांव. हाय देवा, हांव मडगांवचो.

नेत्रा : तूं खऱ्यानींच आर्टिस्टूच न्हय. तर कवीय बी, अेका[illegible] कितलीशींच अुतरां तुवें सांगलीं.

श्रवण : (सिगरेट ओडटा) तूं हांगां अेकलेंचशें ? बाकी[illegible] खंय तर ?

नेत्रा : घरांतलीं सगळीं सिनेमाक गेल्यांत ! (सुभाषाच्यो कु[illegible]

श्रवण : Screen ? टेलिविजन. चित्र, हां सिनेमा ? [illegible] गेल्यांत !

नेत्रा : हय. (तकली हालोवन सांगता.)

श्रवण : तूं गेलें ना सिनेमाक ?

नेत्रा : हालीं पळयना हांव सिनेमा. तूं पळयना सिनेमा ?

(सुभाष कुरवांनी प्रस्न समजायता। पुण श्रवणाक कळू[illegible]

श्रवण : हांव ? हांगा ? हां हां हांव हालींच आयलां हां[illegible] हांगाच कामूय करतां. आं ? हांव सिनेमाक वचना काय [illegible] ना ना, म्हाका तांतले Dialogues आयकुपाक व्राज येता.

नेत्रा : तातूंत वाज कसलो ? अजापूच शें.

श्रवण : तुका आवडनात सिनेमा ?

नेत्रा : म्हाका मूं ? तुका सिनेमांतले Dialogues आ[illegible] वाज येता तसो म्हाकाय सिनेमातले देखावे पळोवपाक वा[illegible] पुण अेक सांग तूं गोविंदाक वळखता न्हय ? थंय ती [illegible] कसली आसा ? ती वाचली आनी रोखडोच गोविंद नाच[illegible] (सुभाष जमनीवयली जायरात ' Dial 'M' for mu[illegible] काडून वाचता आनी श्रावणाकडेन हिता)

श्रवण : आरे ही तर सिनेमाची जायरात– ' Dial ·M[illegible] murder' (अितल्यांत नेत्राच्या हातांतलो सुता–गुळो पड[illegible] सोदपाक तें उठलें. श्रवणाचें ताचेकडेन लक्ष वता.) रांव हां[illegible] हांव हाडून दितां. (सुता–धागो सोदतांसोदतांच श्रवणाचें[illegible] पार्टिशनाफाटल्यान वता. तो धांवटच थंय वता आनी मडें [illegible] किळांच मारता) खून ! खून ! हांगा खून जाला. कोणाचें[illegible] गळो दामून खून जाला,

ावयस ! हांगा खून ? कोणाचो ? कोणें केलो ? आवयस !
ा !
(अतल्यांत सुभाष आनी श्रवण पार्टीशनाफाटीं वचून खात्री
ल्यात. सुभाषाची आनी गोविंदाची वळख आसता. सुभाष
ांगपाचो यत्न करता.)
च ? वच ?
ोंदळून) खंय वचूं ?
ल ? चल ?
य चल म्हणटा ?
अिंग्लेजींतल्यान वचूं ?
तें ? कितें ?
Go ... Go ...
shall I go ?
पंखो? वारो? अिंग्लेजींतल्यान वारो... wind, wind ..
ind हां हां... खून जाला ? तो गोविंदाचो !
ोविंदाचो खून जाला? गोविंद तर येदोळूच गेलो म्हूण
मजलें हांव. देवा म्हज्या !
हो गोविंद कोण ?
०२ नंबरचे कुडींत रावतालों.
तीन–शून्य–दोन, तीनशें दोन नंबरच्या रूमांत रावतालो.
ोगूय पार्टीशना म्हन्यांत वचून येतात.)
य व्हय.
कोणें केला आसत हो खून ?
म्हाका खबर ना.
(सुभाष नेत्राकडेन श्रवणाचें लक्ष वेधता.)
तूं हांगाच आशिल्लें न्हय ?
(तकली हालोवन) हय.
(सुभाष कुरवांनी हय म्हणटा.)
तरी तुवें पळयलें ना ?
म्हाका दिसना न्हय. मातूय. हांव कुडें.
(सुभाषाक अेकदम अजाप. नेत्राक दिसना हें तो कुरवांनी
क सांगता.)
: म्हातारो, सांसपीता ! आं कुड्डो. हें कुड्डें ? (अजात)
म्हज्या अितलो वेळ कशें लक्षांत आयलेंना ?
हय. हांव कुडें म्हाका दिसना.
(परते सुभाष आनी श्रवण पार्टीशनाकडेन अेंक फावट
त.)
: मागीर तुवें खूनी मनशाक पळोवंक नाच आसतलो.
(सुभाष, 'हांवें खुनी मनशाक पळयला' अशें कुरवांनी सांगता.)
: तुवें ताका पळयला ? (अर्थात, सुभाषाक प्रस्न)
: सांगलें न्हय. म्हाका दिसना म्हूणन. (सुभाष नांवाचो मनीस
र आसा हाची आजुनय नेत्राक खबर ना.)
: (सुभाषाच्या कुरवांकडेन पळोवन) तुवें ताका धांवतना
ो ?
: श्रवण, श्रवण, हांव कशें धांवतना पळयतलें ? (सुभाष

कुरवांनी आपणाक खांद्याक धक्को लागलो तें सांगता.)

श्रवण : तुका धांवतना ताचो धक्को लागलो ?

नेत्रा : श्रवण, श्रवण तुकां जालां कितें ? तुका सांगलें न्हय हांवें, म्हाका दिसना म्हूणन ? देवा म्हज्या ! श्रवण तुका कितें दिसता, कुडें म्हणपाचें हांव सवंग करतां ?

(अितलो वेळ नेत्रा अुलयतालें ताचेकडेन सुभाषाचें आनी श्रवणाचें व्हडलेंशें लक्ष नासलें. आतां सुभाषाच्या लक्षांत आयलां. तो श्रवणाक सांगता. अर्थात कुरवांनी कीं 'आरे पापया तें कितें तरी म्हणटा पळय.')

श्रवण : नेत्रा, तुवें म्हाका कितें म्हळें ? म्हजें लक्ष नासलें.

नेत्रा : हांव अितलो वेळ जालो, हडूं फोडून सांगतां आनी तुका खरेंच दिसना ? (फोन अेक सारको वाजता) तो फोन पयलीं घेयात कोण तरी (सुभाष आनी श्रवण दोगूय फोनासरी वचून 'आतां कितें करचें ?' असो प्रस्न घेवन अुबे. पुण सुभाष उपाय काडटा. तो फोनावयलें संभाषण आयकता. आनी कुरवानी श्रवणाक समजयता. त्याप्रमाण श्रवण अुलोवपाचें काम करता. फोन मुरलीधर पानकार ह्या गृहस्थाचो आसता. ताका रॅक्टराक मेळपाचें आसा.)

श्रवण : बरें आसा. हॅलो सांगतां तुजो रकाद. (फोन दवरतात) नेत्रा, तूं कुडें हें म्हज्या लक्षांतूच आयलें ना बरोच वेळ. I am sorry हां. हां. हांवें तुका म्हजीं चित्रा दाखयलीं. रंगाच्यो खबरी केल्यो. खबरी केल्यो खरेंच तूं म्हणटलें हांवें तुजीं फकाणा केलीं. म्हजें वायट धरू नाका हां नेत्रा.

नेत्रा : कांय नज. तो फोन कोणाचो आशिल्लो म्हळें ?

श्रवण : म्हजीं पिशेपणाच जाली.

नेत्रा : तूं अितलो कित्याक कश्टी जाता ? खरें म्हळ्यार म्हजेंच पयली चुकलें. हांवेंच पयली तुका हांव कुडें म्हणपाचें कळोवपाचें. (ताकाच परतें वायट दिसलां अशें सुभाष श्रवणाक सांगता– कुरवांनी)

श्रवण : नेत्रा, तूं तुज्या कुडेपणाचें चश वायट धरूं नाका.

नेत्रा : फोन कोणाचो आशिल्लो म्हळें ?

श्रवण : खरें म्हळ्यार काकूळट माया आपलेंपण बी संवसारांतल्यो जायत्यो गजाली–

नेत्रा : कित्या खातीर फोन केल्लो काय ताणें ?

श्रवण : तुज्या वांटयाक देवान जितल्यो गजाली दिल्यात आसतल्यो तितल्यो हेरांच्या वांटयाक घड्ये येवंक नात आसतल्यो.

नेत्रा : श्रावण, तूं अेक सारकी विशय कित्याक बदलीत रावता ? हांव अेक सारके फोनाविशीं विचारतां' आनी तूं आयकुनच घेना.

(सुभाष 'नेत्रा फोनविशीं विचारता' अशें कुरवांनी सुचयता)

श्रवण : नेत्रा, तूं म्हाका फोनाचें विचारतालें? हाय देवा, हांव हांव आपलो वेगळेंच कित्याय कितें बडबडत आशिल्लो. नेत्रा, खरें सांगूं तुका, म्हाका मातूय आयकूंक येना. हांव भेरो.

नेत्रा : (अजापान) कितें ? भेरो? अशें कशें जातलें? ओगी कितेंय सांगू नाकात ? भेरो जाल्यार अितलो वेळ म्हजे वांगडा कसो अुलयतालो? त्याभार तूं फोनार लेगीत कसो अुलयलो तर ?

(सुभाष कुरवांनी 'आमी फोनार कशे अुलयलें' हाचेबद्दल नेत्रा

विचारता अशें श्रवणाक सुचयता)

श्रवण : फोनार ? हांव ? कसो ? अुलयलों ? हां... हां... हांव फोनाचेर कसो अुलोयलों तें विचारता तूं ? देवा म्हज्या ! सगळो घुस्पागोंदळूच जालो, नेत्रा आनी अेक मजा तुका सांगपाची उल्ली. म्हजे वांगडा हांगा म्हजो अेक मित्र आसा, सुभाष म्हणून. ताका अुलोंवक येना, पुण ताका आयकुंक येता. अेका accidentat ताची बाबड्याची वाचा गेली. तूं अितलो वेळ जें कितें अुलयतालें तें सगळें तो म्हाका कुरवांनीं सांगतालो. सुभाष, असो यो मरे, तुजी नेत्राकडेन वळख करून दितां.

(सुभाष आयल्यान येवन नमस्कार करता. पुण नेत्राक तें दिसूंक ना. हें लक्षांत येवन श्रवण म्हणटा–) नेत्रा, सुभाष तुका नमस्कार करता.

नेत्रा : Sorry हां, सुभाष. तूं येदो वेळ हांगा आसा हें कळ्ळेंच ना. वायट धरूं नाका हां.

(सुभाष मुमुरख्यांनी हांसता.)

श्रवण : कितें मजा पळे. तूं नेत्रा, पुण तुका मातूय दिसना. हो सुभाष, पुण मोनो. आनी हांव श्रवण. पुण मातूय आयकूंक येना.

नेत्रा : अेकेकल्यालें नशीब आनी कितें ?

श्रवण : आरे, मुखेल गजाल आमी साप्प विसल्ले. ह्या खूनांचें कितें ? (नेत्राक) तुवें कांय ताका पळोंवक ना.

नेत्रा : पुण हांवें ताजो आवाज आयकला. ताचीं अुतरां हांवें आय–कल्यांत. 'फारांवक ना, फारावपाची तजवीज आसा.'

(सुभाष ताका कुरवानी सांगता.)

श्रवण : तुवें ताका उलयतना आयकला आनी सुभाषान ताका पळयला.

नेत्रा : तूं सुभाषाकडेन उलयता ?

श्रवण : नेत्रा, हांव आतां सुभाषाकडेन अुलयतां हां. सुभाष, ताचो भेस–बीस कसो कितें आशिल्लो ? हां, पॅन्ट घाल्ली, कोट, बुशकोट, हां सफारी, पायांत बूट आशिल्ले. मिश्यो आशिल्ल्यो. आंगांन मोठो, उंच, केंस मुदयाळे. आनीक, आनीक ?

नेत्रा : सुभाष, तुका अुलोंवक आयिल्लें जाल्यार काय बरें जावपाचें न्हय ?

(सुभाष कुरवांनीं नेत्रान म्हळां तें श्रवणाक सांगता.)

श्रवण : कितें म्हणटा तें ? तूं, तूं तुका, अुलोंवक बरें जावपाचें, तुका अुलोंवक आयिल्लें जाल्यार म्हण्टा ? आरे मागीर प्रस्नूच नाशिल्लो.

नेत्रा : सुभाष, श्रवणाक सांग बेठ्ठो खबरो मारपाचे परस पुलिसेंत फोन करून कळय. पुलीस येवन मागीर कितें करपाचें तें करतीत.

(सुभाष कुरवांनी श्रवणाक कळयता.)

श्रवण : कितें पुलिस ? नाका रे बाबा आमकां ती भानगड. (थोडो वेळ येवजून) पुण अशें कशें ? ना, ना, आमी कांयच केलेना जाल्यार आमकां आनी नेत्राक धोको आसा. आमी कितें तरी करूंकच जाय. (सिगरेट ओडपाक बोलसांत सांसपिता. पाकीट भायर काडटा. पुण सिगरेटी सोंपल्यात. पाकीट सकयल अुडयता.) सुभाष, शिगरेट आसा रे ? (सुभाष ना म्हणटा.) मात्सो घेवन येता ? Please.

(सुभाष शिगरेटी हाडपाक भायर वता.)

नेत्रा : सुभाष भायर गेला ?

श्रवण : नेत्रा, सुभाष मात्सो भायर गेला सिगरेटी हाडपाक.

नेत्रा : हांवें उलयल्लेंच हो अुलयता. आतां हाचे वांगडा कशें ... आनी फायदो तरी कितें ? हांव उलयल्लें हाका कांय आयकूंक ... ना आनी समजुचेंय ना. ओगीच राविल्लें बरें.

श्रवण : अेक सांगू नेत्रा ? सुभाष येसर आमी दोगांयनी ... उलोवपांत अर्थ ना. तुवें अुलयल्लें म्हाका कांयच आयकूंक ... ना. आनी कळपाचेंय ना.

नेत्रा : देवा म्हज्या ! श्रवण, हांवें अेक पळयलां. (ताका ... येना हें जाणा जावनूय आपले भितरूच कशें अुलयता.) हांव ... आसुनूय पळयलां, ज्या मनशाक अेकाद्रें व्यंग आसता न्हय ता... वेगळे तरेची एक शक्त दिवन दवरता. (श्रवण अर्थातच ब्लँक.)

श्रवण : नेत्रा, एक गजाल तुका खबर आसा ? खबर ना ... हांव सांगतां. हांवें अशें आयकलां, आयकूंक येना तरी पण ... ज्याका अेकाद्रें व्यंग आसता न्हयं, कसलेंय, ताचेकडेन देवानूय ... दुसरी खंयची तरी अेक वेगळी शक्त आसता. (अतुल येता.) ... तूं विचारता आसतलें अेक आनी हांव दुसरेंच कितें सांगतां ...

(अतुल कितें तरी सोदीत आसा. तो आपणालो ... हांगा विसरून गेल्लो.)

ना जाल्यार आमी अशें करूया. हांव अेकलोच उलयतां ... तूं आयकत राव. (मात्सो थांबून) ना जाल्यार आमी अशें ... हांव तुका अेक काणी सांगतां. (कदेलार बसून सुचत ... काणी सांगता. नेमक्या त्याच कदेलार अतुलाचो लायटर ... अतुल ताका मोन्यांनीच उठवपाचो येत्न करता.) कितें ... (नेत्राक अतुल आयला म्हणपाची मातूय खबर ना.)

नेत्रा : कांय नाका.

श्रवण : अुठूं ? कित्याक ?

नेत्रा : हांवें खंय तुका ऊठ म्हळां ? हांव अुलोंवकूच ना.

श्रवण : मागीर सारकें सांगूंक जायना ?

नेत्रा : अशें कितें करता श्रवण ? काणी सांगताली ती ... कित्याक ?

श्रवण : कितें सोदता तूं ? कितें जाय ?

नेत्रा : (दुबावान) कोण ? कितें सोदता ? कोण आयला ...

(अतुल ज्ञंवाचूक जावन आसा. श्रवणाक मांडये ... लायटराचें भान जाता.)

श्रवण : आरे, हां, लायटर. वा, बरो मरे ! कितें रे, ... फारायला ?

अतुल : (भान विसरून) फारांवक ना, फारावपाची तजवीज ...

(नेत्राक आपणें हींच अुतरां येदोळ आयकल्यांत ... याद जाता. तें धडपडत धडपडत ताका धरपाचो प्रयत्न ... अुलयता.)

नेत्रा : श्रवण, श्रवण, होच तो, होच तो आवाज. धर ताका, ताका, घट्ट धर, वचूंक दिवं नाका. श्रवण, श्रवण होच ...

(श्रवणाक कांयच कळूंक ना. तो लायटरा वांगडा खेळटा ... अतुलाक मात्सो खेळयता.)

…बरें, खबर आसा रे. तुजोच आसतलों. घे बाबा, जीव …वरें चल्लो ? अच्छा good bye, टाटा. (अतुल …चंबाचूक हेवटेन तेवटेन पळयत वता. नेत्रा अितलें …ाडत, बडबडत स्टेजीचेर मदीं धोपरां आनी हात तेंकोवन …बसलां.)

…, श्रवण, गेलो तो ? देवा कितें केलें तुवें ? काय बरो …ताका ! (श्रवण अतुलाक bye bye करून परतला.) (…मनीर नेत्राकडेन नदर वचून) नेत्रा, नेत्रा, कितें …कितें जाय ? हां… अशें कितें जालें ? तूं बसता ? यो … पळय हांगा कदेल आसा

…ताक धरून कदेलार बसयता. आनी अजापान येवजीत …क पळयत. अितल्यांत सुभाष परतो येता. ताणे अतुलाक …पाचें ताका सांगपाचें आसा.)

… ? कितें ? तुवें खून करतल्याकच पळेलो ? धांवतना…

…ष आयला ?

… तो तर अतुल आशिल्लो ?

…ष, सुभाष, तोच तो. हांवें ताचो आवाज वळखला. हावें …का धर म्हळो, पुण ताका आयकूंक आयलेंना अितल्यांत

…भाष 'तोच तो' अशें कुरवांनी सांगता. आनी नेत्राय … सांगता.)

…रे, आरे, आरे ! काय बरो धरू येतालो. आतां कितें

… पुलिसेक फोन करूया. हांगा हॉस्टेलांत अतुलान …वून केला म्हणून. उरिल्लें ते पळयतीत. (सुभाष नेत्राचें …ांनी श्रवणाक सांगता, श्रवण सुभाष आनी नेत्रा तिगांय …ा कडेन येतात. नेत्रा फोनार अुलयता.)

…ांव पुलीस स्टेशन ? हांव डॉक्टरालें चली नेत्रा गोंयकार …गाच्या अे. बी. सी. कॉलेजीच्या हॉस्टेलांत आतांच अेक … ३०२ रूमांत रावपी गोविंद नावाच्या भुरग्याचो. हो …नांवाच्या भुरग्यान केला म्हणपाचो दुबाव मारता. बेगीन …hanks.

(पडो)

(कल्पना परकी)

…नाटिकेचो माचयेर प्रयोग करूंक सोदतल्यांनी बरोवप्याची …खी मान्यताय घेवप गरजेचें.

संपर्काखातीर पत्तो : **प्रो. प्रकाश थळी**
वझरो, राय, साष्ट
गोंय–४०३ ७२०.

'कुळागर' कोंकणी कथा-स्पर्धा १९८६

- हे स्पर्धेखातीर कोंकणी भाशेंतल्यान देवनागरी लिपीत बरयल्ली कथा धाडची.
- कथा स्वतंत्र आसची.
- कथेची लांबाय दोन हजार उतरांपरस चड आसची न्हय.
- कथा कागदाचे एकेच वटेन रुन्द मार्जीन सोडून बरोवची.
- कथा धाडटना 'कोंकणी कथा स्पर्धेखातीर' अशें लखोटया-चेर बरोवचें.
- पयलें बक्षीस रु. १५०/-, दुसरे रु. १००/-, तिसरे रु. ७५/-
- कथा २० सप्टेंबर १९८६ मेरेन संपादक, 'कुळागर' पो. बॉ. क्र. ७८, मडगांव, गोंय-४०३६०१ या पत्त्याचेर पावोवची.
- बक्षिसां मेळयिल्ल्यो कथा 'कुळागर' च्या दिवाळी अंकात उजवाडायतले.
- हेर वेंचिक कथा जागो मेळटा तश्यो 'कुळागरां' तल्यान उजवाडायतले.

कलम पेड्डेर

– आलम पेड्डेर

अेक आसलो आलम पेड्डेर, ताका मेळ्ळें कलम पेड्डेर.

आलम पेड्डेर म्हळचार किदें ? आलम पेड्डेर म्हळचार आलम पेड्डेर. आलम पेड्डेर ह्या अुतराचो सारको अर्थ आलम पेड्डेर हाजेपरस वेगळो कसो आसूं येता ? तर असो हो आलम पेड्डेर पुर्तुगेजींत आत्म म्हळचार अत्मो. पेड्डेर म्हळचार वायट जावप, भायर पडप अशेंय म्हणूं येता. म्हण्टकच अत्मो व्हगडावन बशिल्लो मनीस तो आलम पेड्डेर ह्या अुतराक जसो पुर्तुगेजीचो वास येता तशें कलम म्हळचार लिखणी म्हण्टकच कलमपेड्डेर ह्या अुतराक हिंदी आनी पुर्तुगेज ह्या दोनूय भासांचो वास मारता. तशें पळेल्यार खंयचेय भाशेंतल्या विंगड विंगड अुतरांक विंगड विंगड वास आयले तरी भास आपलो अत्मो सोडिना. आनी न्हयेंचें मूळ सोदूं नये, रूशीचें कूळ सोदूं नये, साहित्यांतलें वाङ्‌यचौर्य सोदू नये, आनीक कोणाचे किदें किदे सोदू नये ही पथ्यां पाळ्ळी जाल्यार वेव्हाराक बऱ्याक पडटा पुण जो अत्मोच व्हगडावन बसला ताणें दुसऱ्याकडल्यान बऱ्यावायटाची आस्त बाळगुपांत अर्थ ना. ताका वेव्हार पळोवपाची गरज ना. आनी धरूया गरज पडलीच जाल्यार मागीर गरजवंताक अक्कलय ना.

तर हांव किदें सांगतालो ? आं ! अेकदीस आलम पेड्डेर साहित्याचे जात्रेक गेल्लो. श्रीविचित्राचे जात्रेंतलेवरो थंयूय कोण-कोणाचें किदें किदें शेणलेलें, आलम पेड्डेर आपलो अत्मो आदींच शेणोवन बेकार जाल्ल्यान ताजेकडेन शेणोवपासारके कांय अुरूंक नाशिल्ले. पुण भोंवता भोंवतां ताका कोणाची तरी शेगील्ली, पेड्डेर जाल्ली अेक लिखणी मेळ्ळी हें कलमपेड्डेर घेवन तो जात्रेंत भोंवक लागलो. आतां येदी व्हडली साहित्यीक जात्रा म्हण्टकच तांतूंत बरोवपी, कथाकार, कवी, जाण्टे, जेण्टे, बायलो, दादले, चले, चलयो, वाचपी चित्रीक, अुजवाडावपी हांची गर्दी जावपाचीच. हे गर्देंत आलमपेड्डेर भोंवता आसतांना कोणाकूय अेकादऱ्याक ताज्या हातांतलें हें कलमपेड्डेर तोपलें जाल्यार तें जात्रेचेंच अेक सैमीक आंग अशें आमच्यांनीं म्हणूं येता. पुण समजा जात्रेंतल्या कांय लोकांनीं हो हें कलमपेड्डेर आपणाकूच तोपूंक भोंवता असो समज करून घेतलो जाल्यार ? वा चडशाजाणांक तें आपल्याच आंगाक तोपलें बी ना मूं असो दुबाव मारूंक लागलो जाल्यार ? कांय नज ह्या सगळ्या दुबावांक दुशणांक कानामनार घेनासतांना जात्रेंत भोंवत रावप हेंच बरें. जात्राच ती म्हण्टकच थंय कांय बोमाडे फुटप, हातांतल्या खाज्याच्या पुडयेचें सूत सुटप. हाटेलांतलो खंयूय अेक ग्लास फुटप हें जशें आयलें तशेंच कितलो तेंप अेकामेकांक मेळूंक पावूंक नाशिल्ले लोक मेळप, हांगाच्यो थंयच्यो खबरो जावप, घडये नव्या बऱ्या येवजण्यांचो जल्म थंय जावप वा नव्या येवजण्यांची खबर मेळप, नवें किदें घडटा हाजी चर्चा जावप हें आयलेंच.

पुण साहित्यांतलें कितेंय अुणें दाखोवन दिल्यार काय
अुस्तारे वता. पयर अेकलो व्हड साहित्यीक राजधानींतल्य
रस्त्यार रावन व्हडाव्हडान तापतालो. हळू कान दिलो.
टिकाकारांच्यो आयोबायो वयर काडटालो. साहित्यीकाचें
लेगीत अेक साहित्यूच आसता अशें धल्लें जाल्यार त्या साहि
सगळें अुलोवप फाटींफुडें क्रोणें अुजवाडावप्यान अुजवाडायलें
कोंकणीतूच न्हय तर संसारीक साहित्यांत अेक मोलाची
येता. रूखावलीच्या पद्धतींत जशी बोन्साय ही पद्धत
आयल्या आनी मान्यतायेक पावल्या ते भाशेन साहित्याक
नांवाचो अेक नवो साहित्यप्रकार दिल्याचें भाग्य कोंक
येता. पूण त्या कामाक अुजवाडावप्यांकडेन फुडार पारखुप
आसची पडटा. ताणी व्हडव्हड साहित्यीकांच्या लागसार
जाय. वेळ पडल्यार टेपरेकॉर्डर गळयाक घालूनूच भोंव
(प्रभाकरबाब भिडेबाब, तुमी लागी आसात? आय
आमच्या ह्या साहित्यीकांचें म्हणणें अशें कि, 'आमी इ
घेवन (वा काय त्रास घेनासताना) इतले मोलादीक साहित
संसारान तें मानून घेतलें आनी तुमी देडदमडेचे टीका
नांवा दवरतात हाजो अर्थ किदे ? तुमकां टीकाकार
अधिकार कसो आयलो ? तुमी किदे टीका करपा
मेळयल्या ?

प्रस्न बरोबर आसा. आज संसार इतलो फुडें पावल
अंत्राळार भोंवक लागलो. आनी तुमचेकडेन सादो टी
दिप्लोम ना ? ही खरेच लजेची गजाल. पुण खंयचेच युनि
हे अजून कशे येवजूंक ना ? हांवे आयकलां ते भाशेन
वेवसायांतली डिग्री (वा दिप्लोम) दिवपी संसारात अेकू
आसा. तें म्हळचार इंग्लंडातले ऑक्सफोर्ड पॉलिटेक्नी
टीकाकारांक डिग्री दिवपी अेक अभ्यास आमच्या गोंयच्या
टीन किद्याक सुरू करचो न्हय ? (दोतोर तानाजीबा
वशिल्यान हें काम इल्लें करून अुडयतात.) त्या अभ्यास
वेगळे थर आसचे आनी तांचे साहित्यीकांच्या पदव्याकडेन
नातें आसचें. म्हणजे अशें समजा साहित्यीक सादो एस.
जाल्लो वा कमी शिकिल्लो आसलो जाल्यार ताज्या स
टीका करपी टीकाकागचो अभ्यासक्रम सादारणपणान डि
योग्यतायेचो आसचो. जर साहित्यीक पदवीधर आसलो,
टीकाकाराची ग्रॅज्यूयेट वा पोस्टगॅज्यूयेट डिग्रीच्या अभ्यासा
जावची. (आनी हेरांनी त्या साहित्यीकाचेर टीका करपाक
सभेंतल्यान बंदी हाडची) साहित्यीक त्यायपरस चड
आसलो जाल्यार? वा कायच शिकूंक नाशिल्लो पुण आपणे
पुस्तकां पोस्ट ग्रॅज्यूयेट अभ्यासाक लावपासारकी असो ता
आसलो जाल्यार? ... जाल्यार टीकाकारांनी अेक तर ता
वचचे न्हय आनी वतलेच जाल्यार 'आयबाय' ह्या साहित्यप्र
बरो अभ्यास करून दवरचो.

चौकट

- हर्षल रा. दळवी

द्धा व्हिडियो कोच' मडगांव स्टेन्डावेल्यान सुटलो आनी चो प्रवास सुरू झालो मुंबयच्या एक प्रसिद्ध उद्योग- यल बसीन प्रवास करता हाचीच शेखराक लज जातली. र मनात येवन गेलो. मम्मा. पप्पाक हात हालयताना ी दुखां खळखळून पोल्यावेल्यान दवली. मम्माक आयिल्लो नी पप्पाचे तोंडावेली रेशेनरेश म्हाका मडगांवच दवरून बसात आशिल्ले ते म्हजे शरीर. शेखराचे म्हऱ्यांत म्हजी स्थिती अशीच आसता. मन खंयचेखंय भोंवता आनी त शेखराचे वेंगेत. तोवूय गरज भागयल्लेवरी. व्यवहार सगळ्याचोच वीट येता.

न म्हयनेफाटी गोंयात आयले ते वाऱ्यार उडत. आनी वता गाचे ओझे पायात बांधिल्लेवरी. त्या बंगल्याक वचचे, तो ो बुरखो पांघरून अडेचे हांसचे अडेचे उलोवचे ताची नाशिल्ली. फाल्या सकाळी मुंबय बस पावतली, चेंबूराक न ड्रायवर येतलो. बंगल्याक निकतीच जाग आयिल्ली लॉनार बसून डॅडीवांगडा च्या घेवपी शेखराच्या तोंडा- लेगीन हालची ना. शेखर तिडकीन विचारतलो,

दीच शें हे बसीर येवपाचे काडले?'

ठेच' हांवूय मोजकेच उलयतले. आनी रुटीन लाईफ सुरू दोन म्हयन्यानी बायल आयल्या म्हणून शेखर ओढयेन येवचो ना आनी म्हाकाय ताचे कुशीत शिरन कशे दिसचे आमचो संसार. श्रीमंतीचो लेपोड काडिल्लो. कळसुत्र्या री नाचयता तसो नाचपाचो, फक्त मॅनर्स सांबाळीत.

न म्हयनेफाटी हांवे शेखराक गोंयात वता म्हुण सांगले तेच विमानाच्यो तिकीटी म्हज्या हातात दिल्यो. ताचे कर्तव्य तना सादे 'बेगीन यो' लेगीत म्हणूक ना. माँ न हातान र दिले आनी सांगले.

अभि क म्हाका स्विमिंग शिकोवचेले आसा मागीर पावसाक .'

ाकाय ताचे व्हडलेशे दिसले ना. पांचा वर्सांचो तो जीव म्हुण केन्नाच वेंगेत आयलो ना. न्हिदलोय ना. तो सामको गेल्लो. इतले ल्हान वयात जाण्टो जाल्लो. आनी हांव वर्साचे जावनलेगीत आजूनय मम्मा फाटल्यान नाचताले. यने मम्मावांगडा न्हिदले.

मम्मा मात्त अभि क हाडूना म्हुण बेजारली. पप्पान समजा- यली. मागीर ती आपल्या धुवेचेच कौतुकान रमली.

दोन म्हयन्याक शेखराले एकूय पत्र ना. म्हजेय उलोवण्याक घरचो कायच उल्लेख येना हे पळोवन पप्पाक कांयच दुबाव येवंक ना कांय ? तांचे अंजू सुखात आसा अशेच ते धरून चलल्यात ? ना म्हळ्यार अमेयान विचारिल्ले,

'दिदी, भाओजिले एकूय पत्र कशे ना गो ?'

'हांव किते तांची बिझनेस फाईल रे ? ती चूकून गोंयात पावत जाल्यार पत्रच कित्याक तो स्वत:च येत'

अमेय म्हज्या तोंडाक पळयतच उरलो. हांगा मडगांवा पावत सावून म्हाका परते आंकवारपण भुरगेपण मेळिल्ले. खूब उलोवप, व्हडाव्हडान हांसप, अमेयावांगडा झगडप, मम्माकडेन गाऱ्हाणी घेवन वचप, पप्पाबरोबर डिस्कस् करप हातुक दिस कशे सरले ते कळलेच नात. मुंबय म्हजो संसार, म्हजो घोव, म्हजो पूत आसूनलेगीत म्हजे मन परत मडगांवूच धांवतले.

लग्न जाल्ल्याक स वर्सांक हांव रावपाक अशे गोंयात पयलेच फावट आयिल्ले. मदी पांच स फाटी एक दोन दिसाखातीर येवन गेल्ले तितलेच. ह्या दोन म्हयन्याक खरे फ्री वातावरण भोगले. कोणाचेच बंधन ना, मोठे घराण्याच्या सुनेचे कर्तव्य ना आनी मुंबय तयार जाल्ली ती चौकट तर नाच ना.

लग्नाक सव्वीस वर्सां जावनलेगीत मम्मा आनी पप्पाचे एकमेकाबगर पान हालनासले. मम्माचीं पप्पान केल्ली फकाणा, सादी बाजारात लेगीत वतना मम्मान पप्पाक नुस्ते किते हाडू कांय म्हुण विचारप, पप्पान मेयटा ते कामाक मम्माचो घेतिल्लो आधार, कसलीय गोष्ट करतना एकमेकांचे घेतिल्ले मत, जोडयेन पासयेक वचप, आमी कोण ना शे पळोवन हळूच मम्माचे कानात कितेय सांगप आनी मम्मान लजेवप हे असले कांयच म्हजे जीणेत घडू नाशिल्ले. मम्मा, पप्पालो संसार पळोवनूच हांवे म्हजे संसाराचे चीत्र आखिल्ले पुण तातुक रंगच केन्ना भरले नात, ते आळणीच उल्ले.

बस धांवत आशिल्ली. म्हजे मन मात्त फाटल्याफाटल्यान अडखळताले. त्या कंटाळवाण्या, रुक्ष वातावरणात परत वचचे कशे दिसच नाशिल्ले. स वर्सांनी परतून एकदा स्वताचे अस्तित्वाची जाणविकाय जाल्ली. मुंबय प्रत्येकान एक चौकट तयार केल्ली. माँची रमी, किटी, पार्टीस, क्लब हांची चौकट, तर डॅडीची बिझनेसाची चौकट. शेखराली स्वत:ची बिझनेसाची, मिटिंगसाची चौकट आनी अभिची ताचे भुरगेपणाक न सोबपी वेगळी चौकट. हांव मात्त थंय पयस परकी कशी. ह्या स वर्सांत तर हांव म्हजे म्हाकाच विसरून गेल्ले.

बस मुंबय पावली. चिंतला ते प्रमाणे ड्रायवर गाडी घेवन उबो आशिल्लो. बंगल्यार आयले. माँ आनी डॅडी लॉनार बशिल्ली. हांवे थारायले, शेखर बिझनेस टुरार गेला जातलो. म्हाका पळोवन दोगायनय 'गुडमोर्निंग' केले हांवूय श्रीमंती हांसले. आनी उलोव- णेच ना. अभि उठ नाशिल्लो आनी ताका उठयत जाल्यार माँक राग येतलो आशिल्लो.

म्हजें रुटीन सुरू जालें. दोन म्हयन्याक नव्यान फुटिल्लो कंठ, आता परते मोने जावप खूब कठीण जातालें. मन पीशे कशें गोंयान्‌च धांवतालें, गोंयात गेल्लें. तेन्ना मुद्दाम अमेयावांगडा कॉलेजातल्या इश्टिणीगेर गेल्लें. तिवूय कुळारा आयिल्ली पुण म्हजेपरस खूब वेगळी. कुळारा येवन लेगीत घोवागेरच रमिल्ली. घोवाच्यो तोखणायो, ताणें केल्ली फकाणां, मांवान केल्ली अपुरबाय मांयन केल्ली वस्ती हातुकच घुस्पल्ली. हांव मात्त सगळें आयकून अदिकच घुस्मटलें. तांका मात्त हांव सुखाचे ल्हाराचेर नाचता कशी दिशिल्लें. म्हजी श्रीमंती, शेखराले रूप हाणेंच ती दिपकावन गेल्ली हांव मात्त सगळें आसून लेगीत रिकामें जाल्लेवरी..

ह्या रिकामपणातच हांव खंयचेखंय भरकटत उरलें. म्हजें फिलोसॉफीचो फर्स्ट क्लास, बी. ए. चे डिग्रेक लागिल्ली कळम गोंयांत गेल्याक परत लकलकून आयिल्ली. पप्पा स्वता एम. ए., मम्माय फिलोसॉफी घेवन बी. ए. ताका लागून बरीं डिस्कशन्स जातालीं. पप्पा नामांकित आदोवोगाद केसीचेरय घराकडेन डिस्कशन्स. पप्पान सहज म्हणिल्लें,

'अंजू कित्याक L. L. B. करीना ?'

तोवूय विचार मनात परत परत येवन वतालो. आनी तातुकच म्हज्या कॉलेजाचो एक प्रोफेसर आमगेर शेखराचे पयसुल्ल्या नात्यान आयलो. ताणें म्हळें,

'अंजू, आमचे कॉलेजात हायर सेकेंडरीक लॉजीक प्रोफेसरची व्हेकेन्सी आसा. तू तर फर्स्टक्लास बी. ए. लॉजीकाक तर तुका फर्स्टक्लास मार्क आशिल्ले. गोंयात आशिल्लें जाल्यार ट्राय करू येतालें.'

ताचेर मॉन उत्तर दिलें,

'आमच्या घराण्यातल्यो बायलो नोकरी करीनात कसली गरज नोकरेची.'

मन बंड करून उठलें. फाटलें दिसानी एम.ए. करता शेखर फडफडील्लो कित्याक हांवें हें सहन करचें ? वडोवन ह्या बंधनात पडून रावचें ? शेखराक पाटर्यांनी मिरोवपाक, अभिक तर आवयची गरजच ना तो आपल्या मग्न आसा. मागीर म्हजें अस्तित्व तरी कित्याखातीर ? आनी शोकीसीतल्या बावलेंत किते फरक ! हांवें ति थंयचेथंय अॅप्लीकेशन बरयलें आनी प्रोफेसराकडेन दिलें. मार्कलिस्ट, डिग्री हांव पप्पाक फोन करू दी म्हूण सांगतलें.

इंटरव्ह्यू कॉल येना फुडेहांव येवपाची तयारी क प्रोफेसराक मॉं हुजीर सांगलें. ते घराण्याक आजूनमे रीतीभायर वागू नाशिल्लो. म्हजेंच पावल वाकडें पडी सरळ पडील्लें, जय म्हाका किमतच नाशिल्ली थंय रावन उपेग ?

आपलो संसार सोडून येवपी तांचे अपुरबायेची अंजू पप्पा, पयलींइतलोच येवकार दितली कांय ना होच दुबाव तरीकूय ती चौकट मोडटना एकतरेची तृप्ती मनात भरी अंत जातलो म्हूण खोशी आशिल्ली.

कथा

अशी ही जीण

— संदीप नाईक

काळच्यान तो चलतालो. तशें पळोवंक गेल्यार तो काल यान चलूंक लागिल्लो. पुण आयज सकाळच्यान मदीं खंयच नास्तना चलिल्ल्यान तो सामको जार जाल्ल्यावरी जाल्लो. र ताच्या पोटांत कावळे बॉब मारूंक लागिल्ले. काल घेतिल्ले च्याचोच ताका सद्याक उगडास जातालो. ताज्या ताज्या पोटांत कांयच वचूंक नासलें.

ताची हुनसाण, सुर्य माथ्यार आयिल्ल्यान खूपच लागताली. व्हडलेशें लक्ष दिनास्तना पांय जंय व्हरता, थंय तो वेताले. ासाकच आपूण खंय वेतां ताची जाणविकाय नासली.

ेन्ना ताज्यान फुडलें पावल घालप जमना जालें, तेन्ना तो डापोंदा आडवो जालो. दोळे धाकुन तो पडलो खरो पुण यची येता ? पोटान तर कावळे आड्डतात !

ाडाच्या सावलेन ताका मात्शें बरें दिसलें, पुण पोटाचो सलोच. मनिस कितेंय सोसूंक शकता पुण भुकेफुड्यान ताचें चलना हे जल्मान येवन ताका आयज पयलेच फावट . जल्मान घातिल्ल्याक ताका भूक म्हळचार कितें ते खबर कित्याक तर तशी भूक लागच्याआदींच ताचें पान वाडिल्लें लें.

ुण काल मात्शें वेगळें घडलें ... ...

नपरच्या जेवणाची वेळ सरत गेली पुण सदांची रांदचे ी हालचाल ताच्या नदरेन भल्ली ना. त्या भायर, ताका आपोवपी) उलोय आयकूंक आयलो ना. तेन्नाच ताच्या ी पाल चुकचुकली. पुण शेकी तो धीर धरून भितर गेलो.

म्हाका भूक लागल्या, माका वाड.'

रांदच्या कुडीतल्यान आवाज आयलो—

'आयजसावन ताका ह्या घरान जेवण ना. जो मेरेन तू तुज्या कश्टाचे पैशे म्हजेलागीं दिना, तोमेरेन तुका 'माका वाड' म्हण-पाचो कसलोच अधिकार ना. तुका किते दिसता ? घरान बसून रावन काम करीनास्ताना भायर हेडलो म्हणजे जेवण मेळटा ? कश्ट केल्याबगर ह्या संवसारान कांयच मेळना.'

ही उतरां आयकून ताका अजाप जालें. कित्याक तर ताच्या खासा आवयची उतरां आसलीं तीं.

एक लेगित खिण वगडायनास्तना तो घरानसून भायर सल्लो. तो चितूंक लागलो. आयज आपल्या आवयच्या तकलेन असले कशे विचार आयले काय ?

बाबानच तिका तशें करूंक फर्मायलें आसुये.

पुण आपल्याच चल्याक ती अशें कशें म्हुणूंक शकली काय ? आपली अशी खंयची चूक जाली जाका लागून ही उतरां आयकूची पडलीं ?

ताचें चितप चालूच आसलें. पुण आजूनमेरेन तरी कसलोच फायदो जावंक नासलो.

हय, एका अर्थान तें बरेंच जालें म्हणपाचें निदान आपल्याक समजलें तरी, कश्ट केल्याबगर कांयच मेळना.

खरेंच, शिकप शिकून २–३ वर्सां जायत आयलीं पुण हांव मात नोकरी मेळनास्तनां घरा बशिल्लों.

पुण, नोकरी मेळना हातूंत म्हजी चूक खंयची आयली ?

न्हय, तुजीच चूक ती. नोकरी मेळना म्हळचार किते ? फावोराचेर नोकरी मेळना ?

पुण म्हज्या ओळखीचो तसो 'मनीस' खंय आसा ?

वळख करून घेवची न्हय ?

हय, म्हजीच चूक ही. माका म्हज्या ह्या चुकीची ख्यास्त

मेळूंकच जाय. आवयन सांगलां तशेंच जावंक जाय.

'आयजसावन जेवण ना' आतांच त्या उत्तरांचो खरो अर्थ ताच्या लक्षान आयलो. खिणभर ताका कांयच येवजना जालें. पुण रोखडेंच ताणे आपल्याक सांबाळ्ळो.

खूप चितल्या उपरान्त ताणे एक निर्णय घेतलो.

जो मेरेन आपल्या कश्टाचे पैशे घरा पावनात तोमेरेन घरान पावल दवरप ना.

आनी ह्या निर्णयावांगडाच ताच्या आंगांत नवो उत्साह भल्लो. नव्या उमेदीन तो चलूंक लागलो.

... ...फाटल्यो गजाली मतीन घोळयतना ताका कसलो तरी आवाज आयकूंक आयलो. आवाजावटेन ताणे कान ताणले. तो कोणाच्या तरी पिरंगवपाचो आवाज आसा अशें ताच्या लक्षान येनाफुडे तो उठलो. ताच्यान उठूंक नजो आसलें पुण सद्याक तरी उठूंक जाय आसलें. एका हातान झाडाचो आधार घेत तो उठलो. ताणे झाडाच्या फाटलेवटेन नदर भोंवडायली. ताका लागींच एक मनिस जमनीर पडिल्लो दिश्टीक पडलो. ताच्या कपडयांवरसून तो 'भिकारी' आसा म्हणपाचें ताका कळ्ळें.

आपुण ताच्या अुपेगाक पडूंक जाय ह्या विचारान ताच्या पोटाचो प्रस्न खंयचे खंय पावलो. तो धावूनच ताच्यालागीं पावलो तेन्ना तो शाबुद्देभायर आसा म्हणपाचो दुबाव माल्लो. ताणे ताका उखलून झाडाच्या सावलेन व्हरून न्हिदयलो आनिक तो उदक हाडूंक धावलो.

ताका लागींच आशिल्ली बिल्डींग दिस्टी पटली. गेटीनसून तो भितर पांय दवरता थंय आसलो तर कुत्र्याच्या भूंकपाच्या आवाजान तो भिलो. कुत्र्याचो तो अवतारच पळोवन काय किते ताणे 'झक मारलें तें उदक' ह्या विचारान थंयसून कूस माल्ली.

हे गिरेस्त लोक आपल्याक वाचोवंक कुत्रे पोसतात पुण आयज ह्याच कुत्र्याक लागून दुसऱ्याचो जीव वचपाची पाळी येता.

असो अेक विचार ताच्या मनांत आयलो पुण रोखडेंच, असले फाल्तु विचार करपाचो हो खीण न्हय अशें दिशिल्ल्यान तो तेकूनच आशिल्ल्या खोपटेलागीं पावलो.

'टक-टक' करतलो म्हळ्यार दार तरी खंय आसलें त्या खोपटेक ?

'उदक-उदक' अशें आड्डूनच ताणे आपल्या भाशणाची सुरू-वात केली. खंय तरी भितर आवाज जालो. आवाजाच्या दिकेन ताणे भितर पळयलें. अेक म्हातारो न्हिदील्लो ताका दिश्टी पडलो. तो घडये बरो नाशिल्लो आसुयें.

'माका अेक तांबयोभर उदक दितात व्हय ? लागींच अेक भिकारी शाबुद्देभायर आसा. तुमी अुठपाचो यत्न करू नाकात माकांच सांगात खंय आसा तें उदक.'

'भिकारी शाबुद्देभायर आसा' हें आयकनाफुडें म्हातारो (धडपडत) उठून उबो रावलो. उदकान भरील्लो तांबयो ताणे हाच्या हातार दवरलो.

ताची ती अवस्था पळोवन, आपणे हाका ओगिच त्रास दिले असो एक विचार ताच्या तकलेन आयल्याबगर रावलोना.

खूप यत्न करतकूच शेकीं तो शाबुद्देर आयलो. आयल्या आयल्याच ताणे हेवटेन-तेवटेन नदर भोंवडायली. ऱ्यान ताका आदीं थोडया अजापान पळयलें. पुण सकयल उदकाच्या तांबयाक पळेतकूच ताका आपली अवस्था कितें म्हणपाचें समजलें.

'देव बरें करूं' म्हणपाचें काम ताच्या दोळयानीच के

खरेंच, अशा नदरेन आयजमेरेन आपणाक कोणेच नासलें, आपणाल्या आवयन लेगित. खरेंच आयज धन्य जालें

भिकारी उठून उबो रावलो. ताणे आपली पिशवी सो पिशवेतल्यान कितेंतरी काडून ताणे हातान धल्लें.

'हें घे.'

पळयत जाल्यार भाकरेचो कुडको.

'तुका भूक लागल्या. ना म्हुणूं नाकां. भूकेल्लो भू वळखूंक शकतां'

ताणे कांकूं करीनास्तना सरळ भाकरेचो कुडको घातलो पोटांतलो उजो थोडो न्हिवलो.

तेन्ना त्या भिकाऱ्याच्या दोळयानसून ...

ना ! तो भिकारी न्हय ! तो गिरेस्त आसा. हय, तो खूब गिरेस्त आसा. ताच्यालागीं पैशे नासत, पुण मन आसा तो देकून ताका भिकारी म्हणप ? जाच्याकडेन 'मन' आसा 'गिरेस्त' म्हुणूक फाव. पैशे किते ? आयज आसल्यार फाल्या

काल्च्यो गजाली मनान घोळयत वेतना एकदम ताचे सामकार आशिल्ल्या भयानक प्रसंगाक पळोवन, बंद पडले.

ताच्या सामकार एक बिल्डींग आसली. त्या बिल्डींग ल्हानशें पोरूस आसलें. त्या पोरसान ५-६ वर्सां पिरायेचें भुरगें खेळटालें. हें मेरेन सगलें सारके आसले. पुण सद्या एक बैल त्या पोरसान धूमशण काट्टालो. अर्धीं झाडां ताणें वन मोकळीं केल्लीं. आनिक तें भुरगें बॉब मारून 'माकां वा अश आड्डुतालें

फाटीं-फुडें चितीनास्तना ताणे सरळ गेटीवेल्यान उडकी मारली. तो बैल आतां त्या भूरग्याच्यावटेन वेता लेगित खिण वगडायनास्तना ताणे त्या भूरग्याक आडसाक त्या भूरग्याक कसलेच तरेचो त्रास वा दुकापत जावंक ना अशें ताचें मत आसलें.

ताणे केल्लो यत्न फळाक लागलो खरो पुण आपणाक तो ह्या प्रसंगातल्यान वाचवंक शकलो ना.

ताच्या फाटीक बैलाशी शिंगा घुसलीं. तो सकल आ बैलाचो एक पाय ताच्या डाव्या हातार पडलो. तो म आड्डलो. खिणभर ताच्या दोळयामुखार काळोख आयल राकडोच तो उठलो. दुसरेवटेन नदर मारली. तें भुरगें सु आसा हें पळोवन तर ताचें दुखणे खंयचे खंय पावलें. दोळे भल्ले.

'आई गे, आयज, हे काका आसले देकून हांव वाचलें,'

आवयक सांगताले, 'ना तर आयज म्हाका तो बैल
यांमुळांक चिड्डयताच आसलो.'
गो, पुण तुजें नवें जोतें खंय गेले? शेणयलें ना मुगो?
र आसा?'
ाचीं पांयें पडून तें तुटलें आसुये.'
ायकनाफुडे ती भुरग्याक मारूंक लागली.
सु, ताका कित्याक मारतात बेटें? ते आदींच भियेलां.'
ी मात्सो वगी रावात न्हय थंय? भुरगें म्हजें. तुमी
ारी?'

ल्याच कानासकयल आवाज काडील्ल्यावरी ताका जाले.
चा वेळान ह्या भुरग्याचो बापूय आयलो. ताका ही
ळनाफुडे तो ताच्यालागीं आयलो. ताची बरी वासपुस
खडेंच ताच्या घाल्याक सलम लायलें. त्या भुरग्याचो
ायच्या तरी दिसाळयाचो उपसंपादक म्हणपाचें ताका
ाचो अेक फोटो लेगित काडलो. ताका आदीं कांयच
शेकीं समजलें की दिसाळयाचेर छापूंक फोटो काडला

ी केल्ल्या कर्तृपाखातीर आपुण बक्षिस फाव करतलो अशें
ाच्या बापायन जाहीर केलें.

बक्षिस घेवप ना अशें ताणें थारायलें.

ास घेतलें जाल्यार, त्या बक्षिसावांगडाच ताच्या काळजा-
पली याद पुसून वचपाची भिरांत आसली. पुण बक्षिस
जाल्यार तांची फायदोच आसली.

ाणें आपल्या भुरग्याक वांटायलें देकून तें आमकां दिश्टी
ं चितप खिणा-खिणाक मनान आयील्ल्यान ताची याद
दाचें उरतां आसली. हावेंपरस चड ताका आनिक कितें
लें? बक्षिसापरस देव बरें करूं हींच उतरां ताका
दिसतालीं.

ा दिसा सांचो तो दुसऱ्या गांवान गेलो. एकाचें गांवान
रस, लागसल्ल्या सगळ्या गांवानी 'भेट' दिवचें ताणें

ऱ्या दिसा ताका, आयज आपलो दिसाळयाचेर फोटो
ासा, हाचो उगडास जालो.

साळयाच्या दुसऱ्या पानार 'परत यो' ह्या मथळयाखाला
आपलो फोटो ताणें पळेलो. फोटोच्या सकयल ... ...
विजय, तूं घरातल्यान भायर सरून गेल्लयासावन तुजी
पाशीं रावील्ल्यान सामकी दुयेंत पडल्या. आसा थंयसून
रा यो. आमी तुजी वाट पळेतात.'

वाचलें आनी तो मोठ्यान हांसलो. कितें न्याय पळय
ताराचो, आपणेंच घरानसून भायर घालप, आपणेंच नाटकी
रथ आपोवप.

च्या आदीं 'परत यो' ह्या मथळयाखालच्यो जाहिराती
वाचिल्ल्यो आनी तातूंतले 'तूं घरानसून भायर सरून
आवय उपाशीं आसा वा दुयेंत आसा' हें वाचतकूच
ताच्या मनांत धुसपागोंधळ जातालो. पुण आयज ताका सगळें कळून चुकीलें.

ताणें पान नंबर तिनार लक्ष मारलें. आपलो फोटो ताणें पळयलो. पुण ताच्या सकयल्या बातमीचें शिर्षक वाचून तो मात्सो गोंदळलो.

'भुरग्याक वाटावपाचें नाटक करून, गळयातली सरपळी फोरायलो.'

दुबाव नाका म्हूण ताणें सगली मजकूर वाचून काडली. आनीक ती आपल्याचविशीं आसा हें कळनाफुडें ताच्या पोटान धस्स जालें. हें आनिक खंयचें लचाण आयलें काय?

ना! हें तांचें चितप बरोबर न्हय. आपणें तसलें कांयच करीनास्तना फुकटचें हें खरोवन घेवप ना. तांचो दुबाव आतांच पयस करूंक फाव. हय, आतांच थंय गेल्यार बरें जातलें.

दुबावाखातीर बरें केलें आतां आपल्याच आंगार येवंक लागिल्लें दिसता.

तो परतो त्या गावान पावलो. ७–८ मनशां आपल्याचेवटेन येवंक लागिल्लीं ताणें पळयलीं. पयस आशिल्ले पोलीस ताका पळेतकूच ताच्यावटेन धांवंक लागले. पुण ते पोलीस लागीं पावच्याआदींच त्या ७–८ मनशांनी हात हालयले; ताचेर ताणी कितें तरी शेंवटीले.

तो एक फातोर आसा आनिक तो आपल्यावटेन येता हें कळनाफुडे काजाबुल जावन तो फाटीं सल्लो.

ताका आदीं कांयच समजलें ना. ताका कांय लोक हातांत दाणे घेवन येताले दिश्टी पडले. आपलो जीव वाटावंक धांवपेल्यान तो कांयच करूंक शकनासलो.

तो मेळत ते वटेन धांवंक लागलो. काय बाद ताणें माड्डयली आनिक इतल्यान फाटल्यानसून आयिल्लो एक फातोर ताच्या फाटीर आपटलो. 'आवय गे' अशें मोठ्यान आड्डत तो सकयल पडलो.

फाटल्यान येवपी दाणे ताच्या आंगार पडूंक लागले. दर एक दाण्या फाटसून तो 'आवय गे' अशें आड्डतालो. कांय वेळान ताचें आडुप थांबलें.

ह्या दाण्यांचो परिणाम कितें जावपाचो तो जाल्लो.

ताका कितें तरी सांगचें आसुये. तो कुरवानी, आपल्याक मारू नाकात, मांका तुमकां किदें सांगचें आसा! अशें सांगतालो पुण कुरवाकडेन लक्ष दिवपी थंय कोणूच नासलो.

दुसऱ्या दिसा सगळयांमुखेल दिसाळयांनी आयिल्ल्या अेका बजालीची सगलेकडेम चर्चा चलताली.

विगडे-विगडे दिसाळयांनी आयिल्ल्या त्या बातम्यांचीं 'शिर्षकां' आसलीं—

'चोर समजून संन्याशीक मारामारेन मारलें.'

'निकतोच फुलूंक पळयणारो समाजसेवेचो कळो चिड्लो.'

'सरपळी फोरसातच सापडली पुण...'

—▣—

पावला कणकणी.... शंकर भांडारी

-- रवीन्द्र के

' पावला कणकणी ' हे शंकर भांडारी हाचें पयलेंच पुस्तक. शंकर भांडारी हांची प्रतिभा ही तांच्या दिसपट्टचा उलोवपांतल्यान आनी वेळार–अवेळार केल्ल्या भाशणां–तल्यान खुबशा जाणांक पळोवंक मेळ्ळी. ती अक्षरांत बांदपाचो प्रयत्न 'पावला कणकणी' ह्या पुस्तकांत जाला... हो लेखक कोण तें श्री. रवीन्द्र केळेकार हाणी त्या पुस्त–काक बरयिल्ले प्रस्तावनेवयल्यान कळटलें, ती प्रस्तावना आमी हांगा दितात... त्या भायर पुस्तकांतलो एक ललित लेखय ह्या अंकांत दिला.

शंकर भांडारी म्हळयार... शंकर भांडारी.

आनी– कोणाय संबंदान अुलोवचें बरोवचें जाले जाल्यार, तो खंय जल्मा आयल्लो, कितें शिकिल्लो, ताणे कितें–कितें केलें तें सांगचें पडटा. शंकराच्या जिवितांत असल्या गजालींक कुस्कूट लेगीत म्हत्त्व ना. ताच्या संबंदान अुलयतना– बरयतना आमकां ताच्यो आख्यायिकाच सांगच्यो पडटात.

वा ताच्या गुणां–अवगुणांची वळेरी वाचची पडटा.

शंकराच्यो गोंयांत जितल्यो आख्यायिका पातळ्ळयात तितल्यो हालीं मुस्तींतल्या दुसऱ्या खंयच्याच गोंयकाराच्यो पातळूंक नात. तशींच, ताच्या गुणां–अवगुणांचीं जितलीं वर्णनां आयकूंक मेळटात तितलीं दुसऱ्या कोणाचींच आयकूंक मेळनात. तागेले दुस्मान ताच्या अवगुणांची वळेरी वाचूंक लागतात तेन्ना शिशुपालाच्या अपराधां–सारकी अेक मोट्टी वळेरीच भरून काडटात. आनी, तागेले अिश्ट जेन्ना ताच्या गुणांची तूस्त गांवंक लागतात तेन्ना श्रीकृष्णाच्या गुणां परसूय दुपेटींत वळेरी भरून काडटात.

दुसऱ्यांच्या मनांत तिडकी–ओडीची असलीं ल्हारां अुठोवपी मनीस ल्हाना–समानांतलो केन्ना आसूंच नज.

हे नदरेन शंकर अेक अद्वितीय – unique गोंयकार : बुद–वंतांत बुदवंत, प्रतिभावंतांत प्रतिभावंत, शाण्यांत शाणो, मस्त्यांत मस्तो. धीट. कोणाचीच पर्वा नाशिल्लो, कसलीच आनी कोणाचीच मुरवत नाशिल्लो. हजर जबाबी, तेजस्वी, बऱ्याक बरो, वायटाक वायट उपद्रवी...

अंत आनी पार नाशिल्ले गुण आनी अवगुण आशिल्लो गोंयकार हो.

' ओपीनियन पोला ' वेळार कांय जाणांनी ताका तोखणायेन अेक पदवी दिल्ली homem de cabeca sem cabelos–

केंस नाशिल्ले 'तकले' चो मनीस म्हुणय बाकीच्यां आमकां
डोक्टरेटी मेळटीत, पद्मश्री मेळटीत. आमच्यांतले कोण
वा पद्मविभूषणूय जातीत. पुणून म्हाका दिसना, गोंयकारां
अितले अपुर्बायेन आनी तोखणायेन ' तकलेचो ' मनीस म्ह
कोणूय केन्ना जोडूंक पावत म्हुण.

गोंयकारांनी आयजवेर कोणाक 'फक्रांड' आनी 'फटीं
तिसरी पदवी केन्नाच दिवंक ना.

शंकराचेर हांव लुब्ध तो ताच्या अेका मोटचा गुणा
हो गुण म्हळयार तागेली निष्ठा. शंकर कुटुंब–निष्ठ मनीस,
निष्ठ मनीस, तत्त्व–निष्ठ मनीस.

होमकणांत घेवची तशी ताणे कोंकणीचे चळवळीं
घेतली. अैन तरणेपणांतलीं सात-आठ वरसां तो हे
'हुलपलो.' परिणाम : ताचो लग्नाचो 'योग' चुकलो. शंकरा
ना. भुरगीं नात. ताका 'घर', 'संवसार' वा 'प्रपंच' आसपा
नाशिल्लें. कित्याक, ताका कसलेच बांदपास नात. फुडारा
ना. आनी ताणे आपल्या आयुष्याक, जिविताक वा करीयरी
कसलें म्हत्वूय दिलें ना. तरी आसतना, शंकराक 'कुटुंब' आ
स्वताचें न्हय, ताच्या भावांचें आसा, भयणींचें आसा.
सगळचांचे ' संवसार ' ताका लागता. तांच्यो ल्हान–व्हड
सदळ करपाक तो आपुण जावन धांवत वता आनी भांवड
कितें जालें म्हणटकूच– सल्ल्याक वा आधाराक ताचेसरीं
येतात. शंकरा अितलो ' कुटुंब–वत्सल ' मनीस हांवें
अिश्टांत दुसरो पळोवंक ना. ताची ही कुटुंब–वत्सलता ताचे
निष्ठेंतल्यान आयल्या.

तो मित्र–निष्ठूय तसोच आनी तेदोच. ताच्या मित्रांत
आसात, गरीब आसात. पादिसीर आनी भांकरोदूय आसात.
आसात आनी अन्नाडीय आसात. लेखक, कवि, प्रोफेसर
आनी शोफेरूय आसात. पुढारी आसात. आनी आजी–माजी
मंत्रीय आसात. 'दिव्यत्वा'ची खंयूय कसलीय ' प्रचीती ' ये
खंय आनी कोणांत येत, सांगूं येना) ताका शंकरान
अिश्टांत आसपावन घेतला. सगळयांकडेन तो सारको पूर्ण डें
तांचे खातीर कितेंय करपाची ताची तयारी. तांचीय तांचे
कितेंय करपाची तयारी.

निष्ठा दिले बगर असली जिवाक जीव दिवपी निष्ठ
कोणाक मेळना.

गोंयच्या रासवळ जिवितांत शंकराच्या कर्तृत्वाचो
म्हळयार १९६२ पसून १९६८ मेरेनचो. मुक्ती पसून ओपि
पोला मेरेनचो. ह्या काळांत जायते जाण जिवाचें रान करून
कोणे आपल्या भाषणांनी सभा गाजयल्यो. कोणे आपल्या

लो. शंकर ह्या काळांत अक्षरशः 'रस्त्यार आयिल्लो.'
जयल्यात, समाजूय जागयला. तांतयां– तोमातां–फातर
र थू.' करून अडयल्ले निथू झेल्ल्यात. पोलिसांच्यो
त, पदयात्रा काडल्यात, सत्याग्रह केल्यात. कन्वेन्शनां
वणीची हवाय खाल्या. अेक आणि दोन न्हय, कित–
ावळी' केल्यात. ह्या काळांत ताणे दन्पारची खंयची,
लेगीत सारकी घेवंक ना. दन्परचे जेवण लेगीत
ना. ते मुस्तींत जितल्योय चळवळी चल्ल्यो तातूंत शंकर
चेरूच रावला

क कोणे ही कामा कर म्हुण सांगुक नाशिल्लो. कोणेच
मून दिवंक नाशिल्लीं ताणे आपुण जावन तीं अंगार
राष्ट्रीय शक्ती चिड्डून काडपाचें निमित्य काडून त्या
ांत कांय 'महा' राष्ट्रीय शक्ती वयर सरिल्ल्यो आनी
त्या नकशा वयलें गोंयचे नांवनिशाण लेगीत पुसून
ावरूंक लागिल्ल्यो. शंकराक ह्यो 'महा' राष्ट्रीय शक्ती
ती कश्यो दिसल्यो आनी तो अवसर आयिल्ले भाशेन
ाड झुजूंक लागलो.

तींतलो शंकरालो अवतार जाणे पळेला तो आयुष्यांत
विसरपाचो ना.

यार कोणाक खरें दिसचें ना– शंकर मराठी भाशेचो
मराठी कविता आनी मराठी नाटक हीं ताचीं दोन
(दोन 'विकनेसी') गोंयांत 'ग्रांथिक' मराठी अुलोवपी
ाण आसात. (चड करून सगळे मराठीवादी.)
मराठी–पुण्या–मुम्बयच्या 'ब्राह्मणा' भाशेन अुलोवपी
ासात तांच्यांतलो शंकर एक. तो मराठी बरोवपीय
मराठीचें प्रेम आसले बगर असली चालंत मराठी
ची ना. व्याकरणा शिकून भासो येनात. भाशेचेर प्रेम
ास येता. शंकराक मराठी बरी येता कित्याक, शंकराचें
आसा.

प्रेम आसा म्हुण ताका मराठी आपली आवय–भास
य ? ना. शंकराचे तकलेत घयरांव ना. विचारांत कस–
ना. मराठी वेगळी आनी कोंकणी वेगळी–दोनूय भाशांचें
ेगळें, दोनांयचीं व्याकरणी बांदावळ वेगळी, दोनांचीय
तरावळ वेगळी. अशें तो शणै गोंयबाब हातांत पडला
पसून मानीत आयला. मराठी भाशेन कोंकणी मुखार
दुबळी अुल्ली– हाचें कारण तिचे पुत तिचे विशिच्यो
गणुकी विसल्ले हेंच–अशें म्हणीत आयला. गोंयांत येवचे
बय स्लँटर रोडार, जंय तो रावतालो, थंय तागेलें
ंक 'वर्क–शॉप' चलतालें. मुंबयच्या कॉलेजांनी शिकपी
गोंयकार भुरगे हांगा येवन कोंकणी–कार्याची दीक्षा
णी बगर आमच्यांत धनीपणाची भावना जागी जाव–
जशें तो तेन्ना पसून सगळ्यांक सांगीत आयिल्लो.
ा कोणूय 'आमची नाटकां मराठींत, आमचीं भजना
ामचीं किर्तनां मराठींत, आमी वाचतात मराठी, शिक–
' अशें मोटचा अभिमानान सांगतालो तेन्ना शंकराक

ताची भिरभिरी मारताली आनी तो अुसळून ताका विचारतालो सभाग्या, आपणाक भास ना, आपणाक साहित्य ना, आपणाक अितिहास ना हाची लज दिसपा वांटयाचो तुका ताचो अभिमान दिसता ? जींव दी रे वचून बांयंत ! आपुण षंढ म्हुण सांगपांत कसलो अभिमान रे तुका !

स्वतंत्र गोंयात ताका हो 'षंढत्वाचो अभिमान' वचत थंय-थेड करून हिन्दू समाजांत- दिश्टी पडपाक लागलो. मराठी ह्या अभिमानाक पोसवण दिवपाक लागली तेन्ना शंकराक मराठीचीय तिडक मारपाक लागली. तो खोलायेंत देंवलो. (शंकराचें हें वैशिष्ठ्य ध्यानांत धरपा सारकें) तो ह्या 'अभिमाना'चीं कारणां सोदपाक लागलो आनी ताका अेक सोद लागलो पुर्तुगेजांनी आमची कुडूच बंदिस्त केल्ली. मराठीन आत्मोच बंदिस्त केला. आपुण गुलाम म्हणपाची जाणवीक लेगीत आमकां जावंक दिना ही मराठीची गुलामी देखून ती भयंकर. राजकी बंदेपणा परस सांस्कृतिक बंदेपण भयांकूत, तें आमचें सत्वूच नाकारता.

आनी शंकर मराठीच्या सांस्कृतिक वसाहतवादांतल्यान गोंयकारांक सोडोवपाक पोटतिडकीन कोंकणीचे चळवळेंत पडलो.

शंकराक मराठीवादी गोंयकार मात्त लेगीत सोंसना. ताका ताची 'घाण मारता मागीर तो दांतवोंठ चाबून ताका जेन्ना आडवो-अुबो चिरपाक लागता तेन्ना, तो वयाची लेंगीत मुरवत धरीना.

शंकरान आंपल्या आयुष्याकडेन गंभीरपणान केन्नाच पळोवंक ना. तो आयुष्याकडेन फकत खेळ्ळो. पुणून आयुष्यांत गंभीरपणान आनी पोटतिडकीन ताणें खंयचेंच अेक काम केलां जायत जाल्यार, तें हेंच- मराठीवादी गोंयकारांक दया-माया नासताना आडवे-अुबे चिरपाचें.

कोंकणी बरपावळीच्या अितिहासांतली शंकराची सुवात खंयची तें हांव सांगूंक नकळं. शंकराचीच न्हय, तर कोणाचीच सुवात खंयची तें सांगूंक नकळं. बरपावळीच्या अितिहासांत काळ नांवाचो अेक बुलडोझर काम करता. तो व्हडल्या व्हडल्यांक मातये-भरवण करता. हाका लागून आयज जाका आमी व्हडलो लेखतात तो फाल्यां व्हडलो अुरतलोच काय कितें, सांगूं येना. पुणून कोंकणी 'चळवळीचो' अितिहास जेन्ना कोणूय बरयतलो तेन्ना तातूंत 'कोंकणी खातीर पोटतिडकीन झुजपी अेक झुजारी-अेक फायटर' ह्या नात्यान शंकराक अेक मानाची सुवात मेळटली ह्या विशीं म्हाका कसलोच दुबाव ना. शणै गोंयबाबां अुपरांत जीं चार स झुजाऱ्यांचीं नांवां तातूंत येतलीं तांच्यांत शंकराचें अेक नांव खातरीन आसतलें. आमी अेक गजाल विसरूंक फावना : साहित्यिक आनी सांस्कृतिक मळार जी सुवात आयज कोंकणी जोडूंक पावल्या ती- साहित्य अकादमींत पावल्या तशी मराठीवादी गोंयकारांच्या metropolis तल्या मुंबय विश्वविद्यालयातूंय पावल्या- ती कोंकणींतल्या निखट्या लेखकांनीं- रायटर्सांनी तिका जोडून दिवंक ना तर, फायटर्सांनी जोडून दिल्या. कोंकणीक रायटर्सा अितलीच- वा म्हणुंया रायटर्सां परस चड फायटर्सांचीच अजून गरज आसा. कित्याक, कोंकणी अजून आठवे वळेरेंत पावूंक ना. गोंयची कूड भारतीय संविधानान आपल्या गोपांत घेतली, गोंयचो आत्मो अजून घेवंक ना. कोंकणी [illegible] निजाच्या प्रदेशांत लेगीत अजून राजभाशेचो पाट जोडूंक [illegible] 'आमी षंढ' म्हुण मोटया अभिमानान सांगतल्यांत ध[illegible] भावना आमी अजून निर्माण करूंक पावूंक नात. 'कों[illegible] मराठीची बोली आहे म्हणटल्यांचीं तोंडां अजून बंद जावं[illegible] कोंकणीक अजून जायती वाट चलपाची आसा.

जे मेरेन ही वाट आमकां चलची आसा तें मेरेन [illegible] फायटर्सांचीच चड गरज अुरतली.

आनी ते मेरेन आमी सगळे शंकराकडेन मोटे आश[illegible] रावतले.

'स्त्रियश्चरित्रम्' आनी 'पुरुषस्य भाग्यम् केन्ना क[illegible] रूप घेत, हें देवांक लेगीत खंय सारकें सांगूंक येना मागीर, [illegible] सारक्या कर्तुल्वी तेजस्वी प्रतिभावंत मनशाच्या भाग्यात कि[illegible] यल्लें आसा, तें कोण सांगतलो ?" ओपोनियन पोला अुपरांत [illegible] काल पयर मेरेनच्या काळांत शंकर आपली वाट विसल्लेलो. [illegible] छंद आपणाक लावन घेवन दुसरेच वाटेन चलतालो. हे वाटे[illegible] चलत तो पयर सर्गाच्या दारा मेरेन वचून आयलो. थंय पा[illegible] तले खूब थोडे लोक परततात. शंकर परतला. घडये कों[illegible] मळावेलें ताचें 'अवतार-कार्य' अजून सोंपूंक ना जातलें [illegible] बऱ्यांतलें बरें झूज the last and the best अजून [illegible] जातलें, तें हातांत घेवपाची ताका प्रेरणा जावची आनी ह्या [illegible] जैतवंत जावपाक ताका फाव तें आरोग्य आनी आयुष्य [illegible] अितलेंच हांव ह्या पुस्तकाच्या प्रकाशनाच्या निमित्यान [illegible] कडेन मागतां.

साहित्यांत कोणाक कितें रुचत, सांगूंक येना. सौंदर्य श[illegible] अेक नेम सांगला De Gustibus non est disputan[illegible] तुका अमकेंच कित्याक आवडटा म्हुण कोणाकुय विचाल्ल्या[illegible] सारकी जाप दिवंक पावना 'आवडटा म्हुण आवडटा, अशीच [illegible] दितली. जण अेकल्याची रूच वेगळी. ह्या पुस्तकांत जे लेख आ[illegible] ते हाचे पयली पणजी आकाशवाणी वेल्यान वितरायल्लें ल[illegible] आयकल्ले. जायत्या जाणांक ते आवडलेले. तशी पावतीय [illegible] दिल्ली. हांवेय आयकल्ले. त्या वेळार म्हज्या तोंडातल्यान [illegible] फुटिल्लीं : 'शंकरान साहित्याकडेन मात्शे गंभीरपणान पळोवंक[illegible] आशिल्लें... कितलें बरें जातलें आशिल्लें !" खासा शंकराक[illegible] आवडल्यात जावंक जाय. ना जाल्यार पुस्तकां-रुपान तो ते [illegible] दिवचोच नाशिल्लो. लेखक हो लेखकूय आसता आनी आ[illegible] बरपाचो पयलो वाचकूय आसता. ताच्यांतल्या ह्या वाचका[illegible] आवडटा तेंच तो छापपाक दिता. शंकराचे हे लेख वाचताना [illegible] बहुश्रुत म्हणपाचें दिसून येता. व्यासंगी म्हणपाचेंय समजून [illegible] विचारान पुरोगामी प्रोग्रेसीव म्हणपाचें कळटा. आनी प्रतिभ[illegible] म्हणपाचेंय जाणवता. अेकूच शोण काड्चो-सो दिसता : पुस्त[illegible] रूपान हे लेख छापूंक दिवचे पयलीं तांचें मात्शें संपादन ज[illegible] जाय आशिल्लें. आनी पुस्तकाचीं प्रुफां तपासता आसतना दोळ[illegible] मात्शें तेल घालूंक जाय आशिल्लें.

–[illegible]

भेड्डो घोव आनी मोनी बायल

दांव आनी एव्हाची काणी आमकां बरी खबर आसा.
ोत दोगांय मौजा मारून दीस सारतालीं. पुण अेक दीस
ीब चाळवली आनी ते बागेंतलें जें फळ खावंक तिका
तेंच फळ तिणे खाल्लें. देवाक माल्ली तिडक आनी ताणे
ाकैल धर्तरेर धांवडावन दिली. हांगा ती दोगांय मनीस
ळावें जोडपें थल्ली. आदांवाच्यान हेरशीं एव्हाक आडांव
ा ताणे तें काम केलेना. देखून आदांवाकुय एव्हा वांगडा
ोगची पडली. पुण आनी अेक गजाल घडली, ती मूळ
क ना. ती म्हळयार आदांवाक अेक जबरदस्त ख्यास्त
डली. एव्हाचे थार नासताना बडबडपी जीबेचो आदांव
बळी जालो.

यलांची ही थांब नाशिल्ली बडबड आसा, ती सदांच
अजापाचो आनी भेरेवन पडचेलो अेक विशय जावन
वी आनी नामनेच्या बरप्यांनी हाचेर नाना तर्क वितर्क
ोव करून बायलेच्या जीबेच्या लवचिकसाणीचेर लॅटिन
vid) ओव्हिड (metamorphosis) मॅंडामॉंर्फसीस
या पुस्तकांत अेक कथा सांगता (tereus) तेरेवसू हाणे
वेर बलात्कार केलो आनी तीजी जीब कापली. उप्रांत ते
कितें जालें हें तो आमकां सांगीत रावता. वर्णना काव्यात
डीन तिजी जीब थरथरत्या मुळान वेगळी जाली. जमनीर
जीब केदोवेळ वळवळटाली, कितें तरी ल्हव आवाजान
दताली. आनी दुखवल्ले जिवाणे जशें फडफडत सरपट्टा,
हुळहुळीत जीब सरपटत फडफडटाली.

ड नासताना ही जीब जर इतली हुळहुळता तर सगळे
रके आसतकच हिचो प्रताप कितें पळोंवची अशें ओव्हिड

सरच्या कँटरबरी काणयानी बाथ (bath) च्या सज्जन
ी थाँमस म्हण्टा, बायलांची जीब खरवतीच्या पानांची
सूंक जाय आनी अशेतरेन बायलांच्या जीबांची तुळा
ा पानालागीं करून हो देवदूत हे सजणी बायलेक सर्गांत
क नकार दिता. (spectator) स्पेक्टेटर ह्या आपल्या
एडिसनान 'वक्त्यो बायलो' हाचेर खास निबंध बरैला.
या नामनेच्या वक्त्याक सॉंक्रेटिसाक लेगीत जाहीर

अुलोवपाक अेके बायलमनशेन शिकैला अशें सांगून तो फुडें म्हण्टा, 'दादल्यांची तोखणाय करताना कांय जाण म्हण्टात कि खैच्याय विशयाचेर तांच्यानी वरांची वरां अुलोवं येता.' पुण खरें म्हळयार हो भौमान बायलांक वचूंक फाव. तांच्यानी कसलोच विशय नासताना आदेसांचे आदेस बडबडूं येता. पोलक्याची कड कशी धरची हाचेर वरांची वरां अेक बायल अुलैल्ली हांवे आयकल्या. दुसरे अेकलेन वावराडेन चित्र फोडले म्हणून आदेसभर कोंकणींतले सगळे अलंकार वापरून तिका जर्जर केल्ली हांवे पळेल्या. ताका सदांच दिसताले बायलांक न्यायालयांत अुलोवक मेळिल्लें जाल्यार कोर्टाची शान आनी वाडपाची. ती सोबितकाय पळोवंक एडिसन वांचलो ना. ते आमच्याच वांट्याक आयलें ही वेगळी गजाल. तांची कल्पनाशक्ती अतिशय विलक्षण. दुसऱ्याचें इल्लेशें अुणे मेळल्यार तें आपले कल्पनाशक्तीन, प्रतिभेन, मीठ मसालो लावन कशें विस्तारावचें हें कसब तांच्या फाटल्यान सोंपलें. अेकूच गजाल बायलां वेग–वेगळे तरेन–तरेतरेच्या परिस्थितींत रेंवडावन सांगतात. अेक लग्न फिसकटले. अेके जाण्टे बायलेक तो विशय मेळलो. तिणे सारको अेक म्हैनो भर तो चघळलो. पैले सुवातेर तिणे होंकलेक दुशण दिले. दुसरे खेप तिणे तिजी काकुट केली. तिसरेखेपे तिगेलो तिका संताप आयलो. चवथे खेपे अजाप जाले. पांचवे खेपे तिका हांसचे काय रडचे हेच समजलेंना.

बायलांची टांक दादल्यापरस चड कित्यात आसा हे एडिसनाक अजाप आनी तांका दादल्यापरस मोलय चड. घडये बायलांच्यानी आपले विचार दादल्याभशेन दाबून दोवरू नज चेपून दोवरपाची तांची शक्त उणी. देखून जावंये. ताणे आपल्या अेका इष्टाक बायलेच्या जिवाची चिरफाड (disect) करुन तांतूत कांय द्रव्यां वा पातळ पदार्थ अशे आसत कि जांकां लागून थांबनास्ताना अुलोवपाची टांक. ती जीब ज्या मनशाक आसता ताज्यांत येता जाल्यार पळोवपाक फर्मांयले. घडये हे जिबेचे स्नायू वा दोरयो इतल्यो लवचिक आसूये कि ती विसव घेनासताना हुळहुळता जांवये.

ताजी करणां वा मूळ स्त्रोत खंय आसत देव जाणा. पुण हे जीबेंक लागून दादल्याक जायते भोगचें पडलां. आनी पट्टा. आनी देखून ह्या तीक्ष्ण हत्यारामुकार तकली बागैल्याबगर वा आपलो बचाव केल्याबगर तांकां गत्यंतर अुरंक ना. आदांव आनी एव्हाच्या काळारसान तो बावडो हे गजालीचेर उपाय सोदीत आसा. थोड्यानी

डजोड केली. दुसरे कांय परिस्थितीक शरण गेले. 'आलीया भोगासी' हो तांचो मंत्र. उरिल्ल्यांनी ह्या फुटक्या वाजंतराकडेन दोळेझांक केल्या वा तांका भेड्डो कान दिला. हांगासर त्या धडानय व्यापाऱ्याच्या बायलेच्या काणयेची याद जाता. तुमकां घडये खबर आसूये ती काणी. हेनाउप्रांत अवघ्याच दिसांनी तागेले सुंदर आनी अप्रुपाचे बायलेक दसलें तरी वायट जालें. वखद विर्सद करतकच तीं निवळलीं. पुण बायलेची जीब गेली. व्यापाऱ्यान बायलेक बरी करपाक पैशाचें तोंड भळेलें ना. कोण म्हण्टा थैं थैं ताणें वचून घाडीं–नाडी–प्रसाद पाकळी आंगवण, वैज आनी दोतोर केले. निमाणें मुंबै वचून अेका सर्जनान तिगेले ऑपरेशन केले आनी आशिल्लीं तशी तिका वाचा फुटली. पुण थोडयाच तेंपान घोवाक आपणें केल्ली घोर चुक लक्षात आयली. बरोच काळ अुलोवंक मेळल्लें ना म्हणून बायलेन सूड घेतलो, ती इतली बडबडूक लागली कि घोवाची न्हीद लेगीत ना करून उडैली. त्या सोबित आळवतीणींच्या तोंडातल्यान धवधव्याच्या घसघशापरस नेटान अुतरांचो शिवर शिंपट्टालो. व्यापाऱ्यान वेळ काळ करींनास्तना सोमतोच त्याच दोतोराक गांठलो आनी नुकसान भरपाईचो उपाय सुचैलो. तो म्हळचार खासा आपणें ओपेरासांव करून कान भेड्डे करप. उप्रांत बायल पैलीभशेन उलैत रावली. आनी घोव बाबडो 'सुसेगाद' आपल्या वावरांत दंग अुरतालो.

अगणित घोवांच्या दुःखाक वाचा फोडली जायत जाल्यार ह्या घोवान नाजाल्यार ते दीसपट्टे बोबाटचा बायलांकडे अपेसाचें झुंज झुंजत रावपाचे.

हे घोव बाबडे कितले सोंसता हाची तुमकां कल्पना येंवची म्हणून हांव काय अवघेच दाखले दितां.

'अ' न 'ब' क विचाल्ले तू आनी बायल वाद घालतात तेन्ना तुगेले अुतर निमाणें ? ब :– 'हय तर.' हांव सदांच ती सांगता तें म्हण्टा. अेका अविचारी घोवान घरखर्च कमी करपा बायलेकडेन घासाघीस केली. 'तुजे लेक्चर बऱ्याक पडले' विचाल्ले, 'विचारता ? – हांवे त्या उप्रांत सोरो आनी सोडले,' ताणे जाप दिली.

दुसरो अेक कपलाक आंठयो घाल्लो घोव अेका रस्टो भितर सल्लो. थैं चेडवां सव्हं करतालीं. ताणें ऑर्डर दिली. 'कर दोन स्लायसी (पावांच्यो) आनी दुगदुगीत धुवरेल्ली काफी चेडवांक अजाप जाले. पुण गिरायक मागता तें दिवंक जाय. स्लायस आनी काफी हाडून दोवल्ली. आनी विचाल्ले, 'आनी जाय?' 'हय. तू मात्शें म्हज्यो खोडी काडपाक म्हज्या समोर म्हाका घरची याद येता.' गिरायकान म्हळें. 'घोव आनी बायल संभाशणूय देखदिणे आसता.' अेकलेन विचाल्ले, 'लग्न सुद्धा बरी कॉलेज अशे तुमकां दिसना?'– 'दादल्याक न्हय,' घोवा दिली.– 'कित्याक न्हय?' बायलेन पर्थून विचाल्ले. 'कित्याक जा तागेलीबॅशलर ही पदवी तो वगडायता आनी ताका ma ही पदवीं मेळता.'

चलयांच्या अेका घोळक्याक तांचे शिक्षिकेन उपदेश लक्षांत घेवपासारको. 'तुमकां' लग्न करपाचें जाल्यार सैन्या मनशालागीं जायात. ताका रांदूक येता, वाडूंक येता, तो हा घालूंक, सान्न मारूंक बी सगळें जाणा. त्याभायर वरिष्टांचे चोख पाळचेली ताका सवंय आसा.

साधारणशा ह्याच नमुन्याची आनी अेका घोवाची ग लग्न जावन धा वर्सां जाल्लीं. तो मध्यस्थांकडेन गेलो आनी कु करूं लागलो. 'कितें जालां रे तुजें ? कशें वता ?' मध्यस्थ. 'किते कपळ, नवोच लग्न जाल्लो तेन्ना हांव घरांत भितर सरता सुणो पायां लागीं घुटमळत भोंकतालो आनी ती स्लीपर्स दिताली.' 'आनी आतां ?' मध्यस्त. 'आतां–सुणो स्लिपर्स आनी ती भोकता.' घोव अशेय आसून चुकून कांय घोव आसतात. अेका इश्टान अेका घोवाक सांगलें, 'म्हजी बायल आपलेकडेन अुलैता.'– 'तांतूत कितें जालें ? म्हजीय अुलैता तिका दिसता हांव आयकतां म्हणून.'

कशेंय आसूं– 'अखिल भारतीय' घोवांवेलें हे निवारतलो जाल्यार ताणे सहस्त्र (हजार) भटांक हाडून शतचंडी वा हवन करून सगळ्या देवांक, इश्टदेवतांक, कुलदेवतां म्हारवांक, देंवचारांक, पिंपळावेल्याक सगळयांक पराथून गार घालूंक जाय. 'संवसारांतल्या सगळ्या बायलांक मोन्यो आ घोवांक सगळया भेड्डे कर सायबा,' म्हणूक जाय. भट अेखा राजी नासत, भटणी मोन्यो जाल्ल्यो तांका घडये नाका आसत. प्रयत्न करपाक कितें जाला ?

देखून हांव पर्थुन अेक पावट सांगता. तें म्हळयार, 'घो भेड्डो आनी बायल मोनी हें अेकामेकां खातीर खास आदर्श जोडपें.'

–□

Regd. No. (

What does a Child need ?

Acceptance, love and nurture :
Nourishment for his body.
Stimulation for his mind.
Every mother wants to provide all these.
Yet she can always do so.
Poverty and privation
Sharing the burden of earning for the family,
lacking the health or energy on being in a remote area.
these and other related factors hinder her mothering.
In such cases, Goverment intervention with suitable
aid is required.
Integrated Child Development Service is the pledge made
by the Nation and is being fulfilled through the
Integrated Child Development Services Projects set up
in the Territory.